


# शिक्षकां खातीर राष्ट्रीय वेवसायीक मानकां (एनपीएसटी)

**Konkani/ कोंकणी**

*एनपीएसटी मार्गदर्शक दस्तावेज, 2023*

## परिच्छेद 5.20, एनईपी 2020

“राष्ट्रीय शिक्षक शिक्षण परिशद (नॅशनल कावन्सीलकावन्सील फॉर टीचर एज्युकेशन), सामान्य शिक्षण परिशद (जनरल एज्युकेशन कावन्सील-GEC) हाचे खाला वेवसायीक मानक स्थापना संस्था (प्रॉफॅशनल स्टॅण्डर्ड सॅटींग बॉडी-PSSB) ह्या आपल्या नव्या पुनर्रचीत स्वरुपांत, एनसीईआरटी (NCERT), एससीईआरटी (SCERTs), वेगवेगळया पांवड्या वयले आनी प्रदेशांतले शिक्षक, शिक्षक तयारी आनी विकासांतल्यो तज्ञ संस्था, वेवसायीक शिक्षणांतल्यो तज्ञ संस्था आनी उच्च शिक्षणीक संस्था हांचे वांगडा सल्लो मसलत करून, शिक्षकां खातीर राष्ट्रीय वेवसायीक मानकां हांचो एक सर्वसामान्य मार्गदर्शक संच 2022 मेरेन विकसीत करतली. कुशळटायेच्या/पदांच्या वेगवेगळया पांवड्यांचेर शिक्षकांचे भुमिके विशींच्यो अपेक्षा आनी ताचे खातीर जाय आशिल्ल्यो क्षमतायो हांचो आसपाव ह्या मानकांत करतले. हातूंत कामगिरीचे मोलावणी खातीर, दर पांवड्या खातीर थारावन दिल्ल्या मानकांचोय आसपाव आसतलो आनी ही मोलावणी वेळा-वेळार करतले. एनपीएसटी (NPST) सेवा-पूर्व शिक्षक शिक्षण कार्यावळीचे रचणुके विशींचीय माहिती दितली. ताचे उपरांत राज्यां तीं आपणावंक शकतलीं आनी तांचे आदाराचेर कार्यकाळ, वेवसायीक उदरगतीचे यत्न, पगारवाड, बडटी आनी हेर मान्यतायो हांचे सयत शिक्षक कारकीर्द वेवस्थापनाचे सगळे पैलू थारावंक शकतली. कार्यकाळाचो काळ वा वरिश्ठताय हांचे आदाराचेर बडटी वा पगारवाड जावची ना, जाल्यार ती फकत अशे तरेचे मोलावणीचे आदाराचेरच जातली. हे यंत्रणेचे परिणामकारकतायेचें जुस्ताजुस्त, अणभवजन्य विश्लेशण करून ताचे आदाराचेर वेवसायीक मानकांची नियाळणी आनी सुदारण 2030 वर्सा, आनी ताचे उपरांत दर धा वर्सांनी करतले.

“जे संस्थेंत दरेकीदरेकी विद्यार्थ्याक आपलें स्वागत करतात आनी काळजी घेतात अशें दिसता, जंय एक सुरक्षीत आनी उर्बेभरीत शिक्षणीक वातावरण आसता, जंय विद्यार्थ्यांक शिकपा खातीर तरेकवार अणभव प्रकार उपलब्ध करून दितात आनी जंय शिकपा खातीर सगळ्या विद्यार्थ्यांक बऱ्यो भौतीक साधनसुविधा तशेंच उपेगी संसाधनां उपलब्ध आसतात, ती बरी शिक्षणीक संस्था. ह्यो सगळयो गुणवत्ता साध्य करप हें दरेकी शिक्षणीक संस्थेचें ध्येय आसूंक जाय. पूण तेच वेळार, वेगवेगळयो शिक्षणीक संस्था हांचे मदीं तशेंच शिक्षणाच्या वेगवेगळ्या पांवड्यां मदीं निरंतर एकात्मता आनी समन्वय आसप हें लेगीत गरजेचें”.

“A good education institution is one in which every student feels welcomed and cared for, where a safe and stimulating learning environment exists, where a wide range of learning experiences are offered, and where good physical infrastructure and appropriate resources conducive to learning are available to all students. Attaining these qualities must be the goal of every educational institution. However, at the same time, there must also be seamless integration and coordination across institutions and across all stages of education”.

**Dharmendra Pradhan**
Hon'ble Education Minister;
Skill Development and
Entrepreneurship Government
of India Shastri Bhawan New
Delhi-110001

**धर्मेन्द्र प्रधान**
मानादीक शिक्षण;
कौशल्य विकास आनी
उद्देजकताय मंत्री
भारत सरकार
शास्त्री भवन
नवी दिल्ली-110001



## संदेश

राष्ट्रीय शिक्षणीक धोरण (एनईपी) 2020 उत्कृश्टताये खातीर देशाच्या शिक्षणीक मार्गक्रमणांत मार्गदर्शक म्हूण काम करता. आपल्या फुडाराचो विचार करपाच्या दिश्टीकोणां वरवीं ते फकत गिन्यान दिवपी न्हय, तर शिकप, चिकित्सात्मक विचार करप आनी सर्जनशिलताय - हे जे 21 व्या शेंकड्यांतलीं आव्हानां आनी संदी हांचे खातीर शिक्षक तयार करपा खातीरचे अत्यावश्यक गूण आसात, तांची आवड रुजोवपी शिक्षक शिक्षण वेवस्थेची वाट मेकळी करता.

फुडले पिळगेच्या मनाक आकार दिवपाक शिक्षकांची भुमिका म्हत्वाची आसता हें मान्य करून, शिक्षकांक गरजेच्यो साधनसामुग्री आनी गिन्यानान सज्ज करप सगळयांत म्हत्वाचें अशें हें धोरण मानता. परिणामकारक अध्यापन पद्धती खातीर अपेक्षा आनी मार्गदर्शक तत्वां थारावन शिक्षणाचो दर्जो निश्चीत करपा खातीर शिक्षकां खातीर वेवसायीक मानकां गरजेचीं आसात. शिक्षकांचें कौशल्य, गिन्यान आनी योग्यतायेक आकार दिवंक ह्या मानकांची म्हत्वाची भुमिका आसता.

राष्ट्रीय शिक्षक शिक्षण परिशदेन (एनसीटीई) विकसीत केल्लो शिक्षकां खातीर राष्ट्रीय वेवसायीक मानकां (एनपीएसटी) मार्गदर्शक दस्तावेज, जो कौशल्याच्या वेगळया वेगळया स्तरांचेर आनी वेवसायीक कारकिर्दीच्या वेगळया वेगळया पांवड्यांचेर शिक्षकाचे भुमिके संबंदान अपेक्षीत आशिल्ल्यो जबाबदाऱ्यो आनी कौशल्य स्पश्ट करता, मार्गदर्शक तत्वांचो सार ग्रंथ थारतलो आनी अशे तरेन कुशळ आनी चैतन्यशील शिक्षक शक्तीच्या संगोपनांत एक प्रमाण प्रतीक म्हणून काम करतलो.

म्हाका खात्री आसा, अशेच निरंतरी चालू उरपी यत्नांतल्यान, आमच्या देशाच्या शिक्षणीक मळार सकारात्मक बदल घडून येतले, जाचो फायदो फुडल्या पिळग्यांक जातलो.

(धर्मेंद्र प्रधान)

# संदेश



अन्नपुर्णा देवी
माननीय शिक्षण राज्यमंत्री
शिक्षण मंत्रालय
भारत सरकार

शिक्षकां खातीर राष्ट्रीय वेवसायीक मानक (एनपीएसटी) शिक्षकी वेवसाय वयर सरपाच्या आनी सगळयांक दर्जेदार शिक्षणाची खात्री करपाचे वचनबद्धतायेंत एक म्हत्वाचो पांवडो थारायता. एनपीएसटी मार्गदर्शक दस्तावेज शिक्षक, तज्ञ, तज्ञ संस्था आनी ह्या क्षेत्रांतल्या दुसऱ्या भागधारकां वांगडा गंभीर चर्चा, संशोधन आनी आदारान तयार केला. ह्या मानकां मदीं 21 व्या शेंकड्यांत परिणामकारक शिक्षणाचीं व्याख्यां करपी गरजेचें गिन्यान, कुशळटाय आनी सभाव हाचो आसपाव आसा. एनपीएसटी मार्गदर्शक दस्तावेज एक भोवव्यापक चौकट दिता, जी फकत शिक्षकां खातीर स्पश्ट अपेक्षा थारायतना, तर निती आनी निती तत्वां, विशय गिन्यान आनी कारकीर्द वेवस्थापना खातीर पुरावो तयार करपाचो सदांच सुदारणेची संस्कृती लेगीत सांबाळटा.

राष्ट्रीय शिक्षक शिक्षण परिशद (एनसीटीई) आनी ह्या मानकांच्या विकासांत म्हत्वाची भुमिका घेवपी सगळया भागधारकांक हांव मना काळजा थावन परबीं भेटयतां.

*******************************************************************

# संदेश




संजय कुमार, आयएएस
सचीव
शालेय शिक्षण आनी
साक्षरताय खातें
शिक्षण मंत्रालय
भारत सरकार

ए ष्ट्रीय शिक्षण धोरण (एनईपी) 2020 हाका लागून भारतांत शिक्षणाच्या मळार बदल जावपा सारक्यो सुदारणां जाल्यात. सगळयांक सर्वांगीण आनी दर्जेदार शिक्षणाचें ध्येय साध्य करपा खातीर ह्या धोरणांत, शिक्षक वेवसायाच्या विकासाचेर खासा भर दिवन, सगळया सुदारणेच्या केंद्रस्थानाचेर शिक्षकांक दवरल्यात. राष्ट्रीय शिक्षक शिक्षण परिशदेन (एनसीटीई) एनईपी 2020 चो सगळो हेतू लक्षांत घेवन शिक्षकां खातीर राष्ट्रीय वेवसायीक मानकांचो (एनपीएसटी) हो बरे तरेन तयार केल्लो सामान्य संच साध्य करपा खातीर एक सगळें आसपाव आशिल्लो हो मार्गदर्शक दस्तावेज तयार केला. वेगळया वेगळया भागधारकां वांगडा भासाभास/ सल्लोमसलत आनी सहकाराच्या आदारान, हो दस्तावेज सकयल्या पांवड्या वयले नदरेंतल्यान आनी संशोधनाच्या वेगळया वेगळया पांवड्यांचेर मर्यादा दवरून तयार केला. मार्गदर्शक दस्तावेज शिक्षकांचें कौशल्य विकसीत करूंक योग्य थारतलो आनी तांकां संवसारीक मानकां प्रमाणें शिक्षक जावंक सक्षम करतलो अशी म्हाका आस्त आसा.

एनसीटीई आनी ह्या कामांत वांटेकार जाल्ल्या सगळया जाळवणदारांक हांव परबीं भेटयतां

## संदेश



प्रो. योगेश सिंग
अध्यक्ष
एनसीटीई, नवी दिल्ली

एनईपी 2020 उच्च दर्जाच्या अध्यापनाचेर लक्ष दिता, जो शिक्षकांच्या कामाची मर्यादा आनी 21 व्या शेंकड्यांतलें कौशल्य थारायता. शिक्षकां खातीर राष्ट्रीय वेवसायीक मानकां संबंदान मार्गदर्शक दस्तावेज (एनपीएसटी) विकसीत करप आमच्या विद्यार्थ्यांचो शिक्षणीक हेतूहेतू पुराय करपा खातीर कौशल्य शिक्षक तयार करपाचो हेतूहेतू दवरता. एनपीएसटी काम आनी सरावात शक्य तितले उंचेले मानक मेळोवपा खातीर जापसालदार आशिल्ल्या शिक्षकांक एक माची दिता. एनपीएसटींत परिभाशीत केल्ले प्रमाणें, सामान्य मानकां नैतीक मुल्यां आनी नितीमत्ता हाचे संबंदान शिक्षकांचें वागणें, विशयांचें खोल गिन्यान, वेवसायीक संबंद आनी कारकीर्द वाड आनी उदरगतीची येवजण हांचेर लक्ष केंद्रीत करता.

सगळ्यांक दर्जेदार शिक्षण मेळचें हाचे खातीर, योग्यतायेचे भावनेक पालव दिवपा खातीर सगळ्या जाळवणधारां वांगडा पुरायपणान सहकाराची हांव आस्त बाळगितां.

---

## संदेश



केशंग वाय. शेरपा आयआरएस
वांगडी सचीव
एनसीटीई, नवी दिल्ली

राष्ट्रीय शिक्षक शिक्षण परिशदेन (एनसीटीई) सांविधीक संस्था म्हूण भारतांत शिक्षकांच्या शिक्षणाचो दर्जो सुदारपा खातीर जायते उपक्रम हातांत घेतल्यात. एनईपी 2020 उच्च दर्जाच्या शिक्षकांक दर्जेदार शिक्षण आनी शिक्षण क्रियेची एक म्हत्वाची अट म्हूण मान्यताय दिता. ते प्रमाणें, एनसीटीई एनईपी 2020 च्या परिच्छेद 5.20 त थारायल्लें प्रमाणें शिक्षकां खातीर राष्ट्रीय वेवसायीक मानकां संबंदीचो मार्गदर्शक दस्तावेज घेवन आयल्या. मार्गदर्शक दस्तावेजांत दिल्ल्या मानकां प्रमाणें शिक्षकां खातीर वेवसायीक मानकांचें कोश्टक आसा, जातूंत शिक्षकांक किदेंकिदें कळूंक जाय, तांणी कशें सादरीकरण करूंककरूंक जाय आनी 21 व्या शेंकड्यांत प्रभावी अध्यापना कडेन ताची कारकीर्द वाड हाचें स्पश्टीकरण केलां. एनपीएसटी कारकिर्दीच्या वेगळया वेगळया पांवड्यार तज्ञ आनी अणभवाच्या वेगळया वेगळया पांवड्यांचेर शिक्षकां कडल्यान जाय आशिल्ल्यो अपेक्षा आनी योग्यतायेचो आसपाव करतले.

एनपीएसटी संबंदी हो मार्गदर्शक दस्तावेज विकसीत आनी तयार करपाच्या यत्नाक तेकों दिवपी म्हज्या सगळया वरिश्टांचो आनी मसुदो समितीच्या वांगड्यांचे हांव उपकार मानतां. एनसीटीईच्या पुराय पंगडाचें अभिनंदन.

# मांडावळ


| क्रम | अनुक्रमणिका | पान क्र. |
|---|---|---|
| **1.** | **प्रस्तावना** | **1** |
| **2.** | **अध्यापन: एक वेवसाय** | **3** |
| 2.1 | अध्यापन, एक पेशा म्हणून | 3 |
| 2.2 | वेवसायीक मानकां समजून घेवप | 5 |
| 2.3 | शिक्षक आनी अध्यापन हांचे खातीर वेवसायीक मानकांचें म्हत्व | 5 |
| **3.** | शिक्षकां खातीर राष्ट्रीय वेवसायीक मानकां (एनपीएसटी) | **7** |
| 3.1 | एनपीएसटीची प्रासंगिकताय | 7 |
| 3.2 | शिक्षकां खातीर वेवसायीक मानकां | 8 |
| 3.3 | योग्यतायेची वाड आनी उदरगत | 12 |
| 3.4 | शिक्षकां खातीर राष्ट्रीय वेवसायीक मानकां | 13 |
| **4.** | **शिक्षकां खातीर राष्ट्रीय वेवसायीक मानकां (एनपीएसटी) हाचो आराखडो** | **14** |
| 4.1 | मानक 1: मुखेल मुल्यां आनी नितीमत्ता | 14 |
| 4.2 | मानक 2: गिन्यान आनी आचरण | 14 |
| 4.3 | मानक 3: वेवसायीक वाड आनी उदरगत | 15 |
| **5.** | चालीक लावप | **22** |
| 5.1 | कृती आराखडो | 22 |
| 5.2 | उपयुक्तताय | 23 |
| 5.3 | वेळा-वेळार जावपी नियाळ | 23 |

| | | |
|---|---|---|
| **6.** | **एनपीएसटी फ्रेमवर्काचेर आदारीत मुल्यांकन साधना (सुचक)** | 24 |
| **7.** | **एनपीएसटीचेर एनसीटीक्यू खातीर डिजिटल मुळावी बांदावळ** | 35 |
| **8.** | **रेखाटणांची वळेरी** | 37 |
| **9.** | संक्षिप्त रूप | 38 |
| **10.** | ग्रंथसूची | 39 |
| **11.** | एनपीएसटी तज्ञ समिती | 40 |

# 1 प्रस्तावना

राष्ट्रीय शिक्षणीक धोरण 2020 (एनईपी 2020) भारतांतले शिक्षण वेवस्थेंतल्या मुळाव्या सुदारणेच्या केंद्र स्थानाचेर शिक्षकांक दवरता. शिक्षण हें दर एका नागरिकाचे जिणेचेर परिणाम करपी, सदांकाळ जावपी कार्य आसा, आनी त्या कार्यांत शिक्षक म्हत्वाचें पात्र थारता. शिक्षकां खातीर राष्ट्रीय वेवसायीक मानकां (एनपीएसटी) एनईपी 2020 चीं उद्दिश्टां पुराय करपाचो यत्न करता, जाका लागून सगळ्या विद्यार्थ्यांक बऱ्यांतल्या बऱ्या शिक्षणां खातीर समानतायेन प्रवेश मेळटलो. सगळे शिक्षक उमेदी, प्रेरणा दिवपी, उच्च शिक्षीत, सुसज्ज, आनी शाळेंतल्या शिक्षणाच्या सगळ्या मळांचेर, सगळ्या विद्यार्थ्यांक शिकोवपा खातीर पुरायपणान तयार आसूंक जाय. ताका लागून उत्कृश्ट प्रतिभा आशिल्ल्यांनी  शिक्षकी वेवसाया कडेन येवप काळाची गरज आसा.

एनपीएसटीक लागून कारकिर्दीच्या वेगळ्या वेगळ्या पांवड्यांचेर शिक्षकांचे गूण वळखप शक्य जाता. हाचे भायर, ह्या सगळ्या शिक्षकांची तयारी, आचरण आनी कामगिरी सुदारपाचेर लक्ष केंद्रीत करता. मानकां आनी संबंदीत धोरणां मुलभूत एनईपी 2020 च्या तत्वां कडेन संबंदीत आसात, जी शिक्षण प्रणालीक मार्गदर्शन करतली आनी सगळ्यांक उच्च- दर्ज्याचें शिक्षण दिवपा खातीर एनईपी 2020 चे धोरणात्मक उपक्रमाचे कल्पनेक फाटबळ दितली. एनपीएसटी सेवा-पूर्व शिक्षक शिक्षण कार्यावळीचो आराखडो तयार करूंककरूंक आनी शिक्षक कारकीर्द वेवस्थापनाचें सगळे पांवडे निश्चीत करूंक मजत करतलीं.

शिक्षकां मदीं कुशळटाय हाडपा खातीर केल्ल्या यत्नाचें फळ विद्यार्थ्यांक मेळटा. शिक्षकां खातीर राष्ट्रीय वेवसायीक मानकां हातूंत कारकिर्दीच्या वेगळ्या वेगळ्या पांवड्यांचेर आनी कौशल्याच्या वेगळ्या वेगळ्या पांवड्यांचेर शिक्षकां कडल्यान किदें अपेक्षा आसा, तशेंच दर एकल्या खातीर गरज आशिल्ले योग्यतायेचो आराखडो दितले. 2030 ह्या वर्सा राष्ट्रीय पांवड्यार आनी ताचे उपरांत दर धा वर्सांनी विशिश्ट पद्धतीपद्धतीचे कार्यक्षमतायेच्या खर अणभव आशिल्ल्या विश्लेशणाच्या आदाराचेर वेवसायीक मानकांची नियाळणी आनी तातूंत सुदारण करतले.

राष्ट्रीय शिक्षक शिक्षण परिशद (एनसीटीई) ही राष्ट्रीय शिक्षक शिक्षण परिशद कायदो (एनसीटीई कायदो), 1993 वरवीं स्थापीत केल्ली एक संविधानीक संस्था आसा. ती पुराय देशांतल्या सेवा-पूर्व आनी सेवेंत आशिल्ल्या, अश्या दोनूय तरेच्या शिक्षकांचे नियोजीत आनी समन्वयीत विकासा खातीर अधिकृत केल्या. शिक्षण मंत्रालयाच्या आदेशा प्रमाणें 2021 च्या अर्थसंकल्पांत एनपीएसटीचो जाहिरनामो काडिल्लो आनी एनसीटीईक हें काम पुराय करपाची जापसालदारकी दिल्ली. एनपीएसटीच्या वेगळ्या वेगळ्या पांवड्यार वेग- वेगळ्या जाळवणदारां कडल्यान मेळिल्ल्यो सुचोवण्यो आनी सुचोवणेच्या आदाराचेर एनपीएसटी दस्तावेज तयार करपा खातीर एक तज्ञ मंडळ नेमलां. एप्रिल 2021 ह्या काळांत MyNEP2020 पोर्टला वरवीं डिजिटल सल्लो-मसलत वरवीं मुळावें संशोधन केल्लें,  जाका लागून सगळ्यां खातीर तळागळांतल्या निरिक्षणा खाला सुचोवणी/ इनपूट मागयल्ले. ताचे भायर, वेगळ्या वेगळ्या विशयाच्या (डोमेन) वेंचून काडिल्ल्या लक्ष्य प्रेक्षकां मदीं प्रस्नावळी वरवीं खास मतां/ इनपूट मागोवपा खातीर दुय्यम संशोधन केल्लें.

अंतरराष्ट्रीय पांवड्या वयल्यो रिती प्रमाण प्रतीक करपा खातीर चार देशांच्या एनपीएसटी दस्तावेजांचो तुळनात्मक अभ्यासाचो एक अहवाल तयार केल्लो. तज्ञ मंडळान केल्ले खुबश्यो चर्चा आनी सुदारणां वरवीं, एनपीएसटीचेर प्रारंभीक आराखडो तयार केलो आनी 17 नोव्हेंबर 2021 क एनसीटीई वॅबसायटीचेर आनी MyGov पोर्टलाचेर भौशीक नियाळा खातीर उकतो केल्लो. तशेंच, पुराय देशांतले शिक्षणतज्ञ, शिक्षण प्रशासक, शिक्षक अभ्यासक, एचओडी, एससीईआरटी, डीआयईटी, मुख्यध्यापक, शिक्षक ( सार्वजनीक/ खासगीखासगी), बिगर-सरकारी संस्था, अश्या जाळवणदारां कडेन 15 ओपन हावस चर्चा वा संवाद घडोवन हाडिल्ले.

ताचे वांगडाच, पुराय देशांतले शिक्षक, मुख्यध्यापक, डीआयईटी, एससीईआरटी हांचे कडेन प्रारंभीक आराखड्याचें वर्णनकर्त्यां विशीं माहिती मेळोवपा खातीर तशेंच एनपीएसटी दस्तावेजांत उल्लेख केल्ले क्षमतायेची मोलावणी वा मोलावणी करपाच्यो तरा/ पद्धती विशीं सुचोवण्यो मेळोवपा खातीर 5 इन-हावस चर्चा जाल्यो. संशोधनाचो तिसरो पांवडो आशिल्ल्यान, जाळवणदारांच्यो सुचोवण्यो/ सुचोवण्यांचो वापर एनपीएसटीचेर निमाणो आराखडो तयार करूंक केलो आनी 29 मार्च 2022 वर्सा एनपीएसटी खातीर स्थापन केल्ले समिती सामकार दवरलो जाका फील्ड ट्रायल व्हर्जन म्हूण मान्यताय दिली. एनपीएसटी मार्गदर्शक दस्तावेज चालीक लावप आनी परिणाम मोलावणी पुराय देशांतल्या 1175 शिक्षकां सयत केंद्र सरकाराचे मालकीचे 75 शाळांनी (25 केव्हीएस+25 एनव्हीएस+25 सीबीएसई) लागू केल्ली.

शिक्षकां खातीर राष्ट्रीय वेवसायीक मानकां (एनपीएसटी), जशे एनईपी 2020 च्या परिच्छेद 5.20 त विचारांत हाडिल्ल्या शिक्षकां खातीर राष्ट्रीय वेवसायीक मानकां (एनपीएसटी) सगळयां विद्यार्थ्यां खातीर उंचेल्या दर्ज्याच्या शिक्षकांक समान प्रवेश मेळोवन दिवपाचो हेतू दवरता. शाळेंतल्या शिक्षणाच्या संदर्भांत एनईपी 2020 चो हेतू पुराय करपा खातीर एनपीएसटीचेर एक मार्गदर्शक दस्तावेज तयार केला, जातूंत सगळया विद्यार्थ्यांक भावनीक, प्रेरीत, उच्च पात्रतायेचे, वेवसायीक प्रशिक्षण घेतिल्ले आनी पुरायपणान तयार जाल्ले शिक्षकां वरवीं शिकयतात. शिक्षक कारकीर्द वेवस्थापन आनी दुसरीं मान्य आशिल्लीं सगळीं तासां पुराय करप हें तांचें ध्येय आसा. हें बऱ्या दर्ज्याचें विधान आसा आनी वेगळया वेगळया पांवड्यार/ स्तरार शिक्षकांची कार्यक्षमताय परिभाशीत करता.

एनसीटीईत नॅशनल सॅण्टर फॉर टीचर क्वालिटी (एनसीटीक्यू) हो डिजिटल व्यासपीठ उबारलो जातूंत एनपीएसटी चालीक लावपा खातीर जापसालदार नॅशनल रिपॉझिटरी आसतली. हाचे भायर, चड संसाधन व्यक्ती/ एजन्सी तयार करपा खातीर भागधारक/ चालीक लावपाचे एजन्सीची क्षमता वाडोवपाचें कार्य हातांत घेतले.

राज्यांतले/ केंद्रशासीत प्रदेशांतलें सरकार मानकांचो स्विकार करूंक शकता आनी संस्था नवी शिक्षणीक शाळा रचणुके प्रमाण (5+3+3+4) शिक्षकांचो अपेक्षीत कौशल्य संच मेळोवन दिवपा खातीर, तीं चालीक लावंक शकता.

# 2. अध्यापनः एक वेवसाय

## 2.1 वेवसायाच्या नदरेन अध्यापन

अध्यापन हो संवसारीक पांवड्यार सगळ्यांत सुसंस्कृत वेवसाय अशें मानतात आनी समाजीक विकासा कडेन लागीं आसा. पुरातन काळांत शिक्षक हो समाजाचो सगळ्यांत मानादीक वांगडी आशिल्लो आनी चडश्या शिकिल्ल्या व्यक्तींक ह्या वेवसायांत भितर सरपाची मान्यताय आशिल्ली. शिक्षक हो शिक्षण वेवस्थेचो केंद्र आशिल्लो आनी ताचें गिन्यान, कौशल्य आनी नितीमत्ता विद्यार्थ्यां मेरेन बरे पद्धतीन पावोवपाचें काम गरजेचें आशिल्लें. शिक्षण वेवस्थेंत विकास आनी शिक्षकांची बदलपी भुमिका हाका लागून, शिक्षकांची पात्रताय वाडोवप हें खूब काळा सावन आनी तिगोवन दवरपी राष्ट्र उबारणी खातीर, खुबूच म्हत्वाचें काम आसा. समाजीक कार्य आनी समाजीक चर्चेचो एक प्रकार म्हूण, अध्यापन हो एक खर नितीमत्तेचो आनी आदर्श आसा जातूंत वेवसायिकांनी हें करप खूब गरजेचें आसा:

- भुरग्यांची जतनाय घेवप आनी तांच्या वांगडा रावूंक आवडप, विद्यार्थ्यांच्या वेगळेपणाचो आदर करप, समाजीक, संस्कृतीक आनी राजकीय मळाचेर भुरग्यांक समजून घेवप, तांच्यो गरजो आनी कागाळी विशीं संवेदनशिलताय विकसीत करप आनी सगळ्या भुरग्यांक एक सारकी वागणूक दिवप.
- भुरग्यांक गिन्यान मेळोवंक निश्क्रीय अशें समजुचें न्हय, अर्थ तयार करपाची तांची सैमीक ओड वाडोवची, तोंडपाठ करूंक दिवचें न्हय आनी शिकप उमेदी, वांटेकार जावन आनी अर्थपूर्ण करप.
- अभ्यासक्रम आनी पाठ्य-पुस्तकां गंभीरतायेन तपासप आनी थळावे गरजे प्रमाणें अभ्यासक्रमांची फाटभूंय दिवप.
- अभ्यासक्रमांत दिल्लें गिन्यान, तें फकत गिन्यान दिलां अशे तरेन जावंक जायना.
- शिकपी-केंद्रीत, क्रिया-आदारीत, वांटेकार जावन शिकपाचो अणभव आयोजीत करप- तातूंत खेळ, प्रकल्प, चर्चा-भासाभास, संवाद,परिक्षण, भेट दिवप आनी तांचें आचरण हें प्रतिबिंबीत जावप हाचो आसपाव आसा.
- वर्गांत जावपी वेगळेपणाक जाप दियत, विद्यार्थ्यांच्या समाजीक आनी खासगी खरेपणा कडेन शिक्षणाक एकठांय हाडप.
- शांतताय, लोकशाय जगपाची तरा, समानताय, न्याय, स्वातंत्र्य, भावकी, धर्मनिरपेक्षताय, आनी समाजीक पुनर्बांदणी खातीर कळकळ अश्या मुल्यांक पालव दिवप.

जाळवणदारां मदीं चर्चा करून मानकांचेर स्पश्टीकरण दिवप आनी एकमत जावन हाका लागू जावं येताः

- बऱ्या शिक्षणाच्या पांवड्या विशीं चड स्पश्टताय आनी वचनबद्दताय.
- बऱ्या शिक्षणाचे नेम आनी समर्थन दिवपी त्या वेळार येवपी विचारांक समजून घेवप.
- शिक्षकांक तांच्या वेवसायीक आचरणा खातीर गरजेचे आयाम स्पश्ट करप आनी परत सांगप आनी वर्गांक शिकोवपी केंद्रीत करप आनी तांच्या मनांतल्या विचारांक वाट दाखोवपाचें काम करप.
- शिक्षकांक आदार दिवपा खातीर इकोसिस्टम आनी एक्सो-सिस्टम डिझायन करप आनी वेवस्थापन करप, बरें शिक्षण आनी कारकीर्द वाडोवपा खातीर शिक्षकांची तयारी हाचे विशीं चड समजून घेवप.

शिक्षण हक्क कायदो 2009 शिक्षकां कडल्यान आशिल्ल्यो अपेक्षा आनी शिक्षणाचो दर्जो थारायता, जाका लागून शाळेंतल्या भुरग्यांक सकारात्मक शिक्षणीक अणभव मेळटलो आनी तातूंत शिक्षणा वरवीं समर्थन जातलें. आरटीई अधिनेम, 2009 हातूंत थारायल्ल्या प्रमाणें शिक्षण अशें आसूंक जायः**[कलम 29/2, आरटीई कायदो 2009]**

- लोकशाय, न्याय्य आनी शांततायेच्या समाजाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर भारतीय राज्यघटनेन नोंद केल्ल्या मुल्यांक धरून.
- विद्यार्थ्यांची पुरायपणान उदरगत घडोवन हाडप.
- विद्यार्थ्यांचें गिन्याय, तांक आनी प्रतिभा वाडोवप.
- विद्यार्थ्यांचो शारिरीक आनी मानसीक तांकीचो पुराय विकास करप.
- भुरग्यांक अनुकूल आनी भुरगीं- केंद्रीत पद्धतीन क्रियाशीलताय, सोद आनी भोंवडे वरवीं शिक्षण घेवंक अनुकूल करप.
- शक्य आसा तितल्या प्रमाणान विद्यार्थ्यांचे मायभाशेंतल्यान करप.
- भंय, धसको आनी हुस्को हातूंतल्यान मुक्त जावन शिकप जाता हाचेर लक्ष दिवप आनी विद्यार्थ्यांक मेकळेपणान भासाभास करूंक मजत करप.
- समजुतदारपण आनी तांक ह्या दोगांयची सदांच भोवव्यापक मोलावणी करप.

ताका लागून दर एका भुरग्याक मानान जीण जगूंक जाता.

शिक्षणांत सगळो आसपाव आसूंक जाय आनी उपेक्षीत समाज, भाशीक आनी संस्कृतीक अल्पसंख्यांक लोक, अनुसुचीत जात, अनुसुचीत जमात आनी हेर मागास समुदायेंतल्या आनी विशेश गरज आशिल्ल्या मंद बुद्धीच्या भुरग्यांक मजत करता. एनईपी 2020 ह्या काळांत दिल्लें शिक्षण आनी

खरीच शिक्षणाची नदर सगळ्यांचो आसपाव आशिल्लें शिक्षण आनी शाळेंतल्या सगळया पांवड्या वयल्या वर्गांत वेगळेपणाचेर लक्ष दिता.

एनईपी 2020 खास आव्हानां कडेन लक्ष ओडून घेता, जाका लागून शिक्षकांच्या शिक्षणीक पद्धतीक सकारात्मक जाप दिवूंक जायः ***(धोरणाचीं तत्वां)***

- अभ्यास तोंडपाठ करपा बदला उंचेल्या पांवड्या वयलो विचार, गंभीर विचार, वासपूस आनी एकविसाव्या शेंकड्यांतल्यो कुशळटायो.
- शिकप भोवशिस्तीचें, अणभवात्मक आनी वास्तवीक आपल्या हातान करप.
- भोव-भाशीकताय
- गिन्यानाच्या देशी दायजाक मान दिवंक आनी ताचे कडेन एकात्म जावंक विद्यार्थ्यांक योग्य करप.

## 2.2 वेवसायीक मानकां समजून घेवप.

"मानक" ह्या उतराची व्याख्या वेगळया वेगळया संदर्भांत आनी देशांत, वेगळया वेगळया अर्थान करतात. मानक हे वेवसायांत कितलें गरजेचें आसा, हाचे विशीं विधानां केल्लीं आसात आनी सादारणपणान शिकपाचो वा अभ्यास करपाच्या संदर्भांत मेळोवपा खातीर, सगळ्यांत चड अपेक्षा दवरपा सारकें किदें आसा, हाचें वर्णन आनी संवाद करपा खातीर वापर करतात. शिकपाच्या संदर्भांत, मानकाचीं व्याख्यां शिकपाचो परिणाम म्हूण करतात, पूण वेवसायीक वा वेवसाया संदर्भांत, मानकाची व्याख्या तांकीचो परिणाम म्हूण करतात, म्हणल्यार एकाद्या खासा वेवसायीक डोमेनांत योग्य मानपा खातीर कोणाक किदें कळूंक जाय हें गरजेचें आसा आनी करूंक योग्य आसप गरजेचें आसा. वेगळे तरेन सांगपाचें म्हणल्यार, दर्जो आशिल्ल्या कामां खातीक योग्य मानून घेवपा खातीर, मानकाचो वापर बॅन्चमार्क वा वेवसायाच्या कामाची मोलावणी करपाचें साधन म्हूण करतात. दर्जो आशिल्लें शिक्षण म्हणल्यार किदें? ह्या मुळाव्या लक्ष दवरपा सारक्या वेवसायांत किदेंकिदें मोलाचें आसा, दर्जो आशिल्लें शिक्षण म्हणल्यार किदें, हें दाखोवन दिवपी वाक्यां म्हणल्यार मानक आसा. ह्या मुल्यांचो अर्थ शिक्षकांक कित्याक कळूंक जाय, ताचेर विस्वास दवरूंक जाय, हें वाक्यां थारायतात.

## 2.3. शिक्षक आनी शिकोवपा खातीर वेवसायीक मानकांचें म्हत्व

बऱ्या आनी  अपेक्षा आशिल्ल्या शिक्षणाचें स्पश्टीकरण आनी शिक्षकांचे गूण आनी खाशेलपणां खुबश्या धोरणात्मक प्रमाणपत्रांत स्पश्टपणान वा अस्पश्टपणान पळोवंक मेळटात. केंद्र पुरस्कृत शिक्षण सुदारणां मोहीम म्हणल्यार सर्व शिक्षा अभियान (एसएसए) चालू करून सेवेच्या काळांतलें शिक्षण आनी प्रशिक्षणाचो उद्देश हे कल्पनेंतल्यान स्पश्ट जालां. हे विचार शिक्षक शिकोवपा खातीर राष्ट्रीय अभ्यासक्रम फ्रेमवर्क (एनसीएफटीई,2009) ह्या काळांत थारायल्ल्या मार्गदर्शक तत्वांनी आसपावीत आसा आनी एनईपी 2020 काळांत सुचयल्ले प्रमाणें सेवा-पूर्व शिक्षक शिक्षण कार्यावळी खातीर अभ्यासक्रमाचे चौकटीचो विकास आनी डिझायनांत हालींसराक स्पश्टपणान पळोवंक मेळनात.

एनईपी 2020 चो प्रस्ताव असो आसा, वेवसायीक मानक वेवसाय तयार करप आनी स्थापन करपाचेर ताबो दवरतले, जी जापसालदारकी, सांबाळ, वेवसायीक विकास, दर एक पांवड्याचेर कारकीर्द मार्ग आनी सरल गमनशिलताये कडेन जोडिल्ली आसात. शिक्षकांक लागून वेवसायीक मानकांचो एक संच योग्य करूंक शकताः

- शिक्षकाची काम करपाची तरा स्पश्ट करप.
- काम आनी सेवा अटी तयार करप.
- शिक्षकांच्यो शिक्षणीक कार्यावळी परत रचप.
- शिक्षकांची नोंद
- जिवीतभर शिकप आनी कारकिर्दीचो विकास करूंक फुडें काडप.
- शिक्षकांचे पात्रतायेन साम्यताय तयार करप आनी गमनशिलताय योग्य करप.
- शिक्षकांच्या गुणांची मोलावणी.
- शिक्षकांच्या प्रोत्साहनाक तेंको दिवप
- शिक्षकांची जापसालदारकी/ तांचीं कर्तव्यां थारावप.


मानकांच्या पांवड्याचेर लक्ष दिल्यार तांच्या खासा वापराच्या आदारान वेगळें किदें आसूं येता. जाल्यार, एक सारकें मानक हें थारायतलें, तें म्हणल्यार शिक्षक आनी वेवसाय हातूंत शिकवणी संबंदांत वेगळया वेगळया गजालींत धोरणां पद्धतशीर आसात.

# 3 शिक्षकां खातीर राष्ट्रीय वेवसायीक मानकां (एनपीएसटी)

भारतात गिन्यानाच्या क्षेत्रांत बदल घडत आसा. ताका लागून एकविसाव्या शेंकड्यांतल्यो गरजो भागोवपा खातीर शिक्षण वेवस्थेंत सुदार जावप गरजेचे आसात. भारताचें एनईपी 2020 हें 21 व्या शेंकड्यांतलें देशाचे पयलें धोरण आसा आनी आमच्या देशाच्यो खुबश्यो वाडट्यो विकासाच्यो गरजो पुराय करप हो तांचो उद्देश आसा. शिक्षक खऱ्या अर्थान आपल्या भुरग्यांचो आनी म्हणूनच आपल्या देशाचो फुडार घडयता. सगळयां खातीर पुरायपणान आनी दर्जो आशिल्ल्या शिक्षणाचो उद्देश पुराय करपा खातीर, एनईपी 2020 न शिक्षकी वेवसायाच्या विकासा खातीर खासा लक्ष दिलां आनी सगळयो सुदारणां करपाच्या केंद्रस्थानार शिक्षकाक दवरला. उत्कृश्ट आनी हुशारकायेन शिक्षकी वेवसायांत भितर सरूंक प्रोत्साहन दिवप आनी शिक्षकांक योग्य करप आनी तांकां तांचें काम शक्य तितले कार्यक्षमतेन करूंक मजत करप.

## 3.1 एनपीएसटीची समर्पकताय

राष्ट्रीय शिक्षक शिक्षण परिशद (नॅशनल कावन्सील फॉर टीचर एज्युकेशन), सामान्य शिक्षण परिशद (जनरल एज्युकेशन कावन्सील-GEC) हाचे खाला वेवसायीक मानक स्थापना संस्था (प्रॉफेशनल स्टॅण्डर्ड सॅटींग बॉडी-PSSB) हे आपले नव्या पुनर्रचीत स्वरुपांतल्यान, एनसीईआरटी (NCERT), एससीईआरटी (SCERTs), वेगवेगळे पांवडे आनी प्रदेशांतले शिक्षक, शिक्षक तयारी आनी विकासांतल्यो तज्ञ संस्था, वेवसायीक शिक्षणांतल्यो तज्ञ संस्था आनी उच्च शिक्षणीक संस्था हांचे वांगडा सल्लो मसलत करून, शिक्षकां खातीर राष्ट्रीय वेवसायीक मानकां हांचो एक सर्वसामान्य मार्गदर्शक संच 2022 मेरेन विकसीत करतली. कौशल्याच्या/ पदांच्या वेगवेगळया पांवड्यांचेर शिक्षकाच्या भुमिकेच्यो अपेक्षा आनी ताचे खातीर जाय आशिल्ल्यो क्षमता हांचो आसपाव ह्या मानकांत करतले. हातूंत कामगिरीचे मोलावणी खातीर, दर पांवड्या खातीर थारावन दिल्ल्या मानकांचोय आसपाव आसतलो आनी ही मोलावणी वेळा-वेळार करतले. एनपीएसटी सेवा-पूर्व शिक्षक शिक्षण कार्यावळीचे रचणुके विशींचीय माहिती दितली. ताचे उपरांत, राज्यां तीं आपणावंक शकतलीं आनी तांचे आदाराचेर कार्यकाळ, वेवसायीक विकासाचे यत्न, पगारवाड, बडटी आनी हेर मान्यतायो हांचे सयत शिक्षक कारकीर्द वेवस्थापनाचे सगळे पैलू थारावंक शकतलीं. कार्यकाळ वा वरिश्ठताय हांचे आदाराचेर बडटी वा पगारवाड जावची ना, तर ती फकत अशे तरेचे मोलावणीचे आदाराचेरूच जातली. हे यंत्रणेच्या परिणामकारकतायेचें जुस्ताजुस्त, अणभवजन्य विश्लेशण करून ताचे आदाराचेर वेवसायीक मानकांची नियाळणी आनी सुदारणां 2030 वर्साक आनी ताचे उपरांत दर धा वर्सांनी करतले. कारकीर्द"[परिच्छेद 5.20, एनईपी 2020]




चित्र 1. शिक्षकांच्या तयारेचें रेखाटण

**3.1.1 शिक्षक शिक्षणः** एनपीएसटी एनईपी 2020 ह्या काळांत थारायल्ल्या प्रमाणें सेवा-पूर्व शिक्षक शिक्षण कार्यावळीच्या डिजायनाची माहिती दितले.

**3.1.2 शिक्षकांची भुमिका वेवस्थापनः** कुशळटाय/ पांवड्याच्या वेगळया वेगळया पांवड्यार शिक्षकांचे भुमिकेची आस्त आनी त्या पांवड्या खातीर गरज आशिल्ले योग्यतायेचो आसपाव आसतलो. दर एका पांवड्या खातीर, एनपीएसटीत कामाचे मोलावणी खातीर मानकांचो आसपाव आसतलो.

**3.1.3 शिक्षक कारकीर्द वेवस्थापनः** कार्यकाळ, वेवसायीक विकासाचे यत्न, पगारवाड, बडटी आनी दुसरे मान्यताये वांगडाच शिक्षक कारकीर्द वेवस्थापनाचे सगळे पैलू.

**3.1.4 शिक्षक वेवसायीक विकासः** शिक्षकांक स्वताच्या सुदारणा खातीर आनी तांच्या वेवसायांत सद्याचो नवो बदल आनी प्रगती शिकपा खातीर सदांच संद दितले.

एनईपी 2020 प्रमाणें, शिक्षक तयारी ही क्रिया आसा जाका लागून सगळ्या विशयांचो दृश्टीकोन आनी गिन्यान, सभाव आनी मुल्यां तयार करप आनी उत्कृश्ट मार्गदर्शकांच्या मार्गदर्शना खाला सरावाचो विकास गरजेचो आसा. ताका लागून शिक्षकांनी भारतीय मुल्यां, भास, गिन्यान, निती आनी परंपरेचेर आदारून आसप गरजेचे आसात, तशेंच शिक्षण आनी शिक्षणशास्त्रांतल्या आधुनीक विकासाची बरी जाणविकाय आसप गरजेचें आसा. एनपीएसटी म्हणल्यार शिक्षणाचो दर्जो म्हणल्यार किदें आनी भारतांतल्या विद्यार्थ्यांचें शिक्षणीक परिणाम सुदारपा खातीर किदें गरजेचें आसा हाचे सगळ्या खातीर सांगणें आसा. हे मानक मार्गदर्शक घोशणांचो एक संच आसतलो जो कारकिर्दीच्या वेगळ्या वेगळ्या पांवड्यांचेर कौशल्याच्या वेगळ्या स्तराचेर शिक्षकांचे भुमिकेची आस्त दाखयता. आकर्शक शिक्षक कसो आसता आनी शिक्षणाचे कारकिर्दीच्या दर एक पांवड्यार 21 व्या शेंकड्यांत शाळांनी शिक्षक म्हणून काम करपा खातीर खंयच्या कौशल्याची गरज आसा हे लेगीत मानकां स्पश्ट करतात.

## 3.2 शिक्षकां खातीर वेवसायीक मानकां

शिक्षकां खातीर वेवसायीक मानकांची चोकट बऱ्या शिक्षकांच्या गुणा विशीं आनी बऱ्या अध्यापनाच्या विशीं स्पश्ट आनी आपल्या भितरल्या व्यक्तीमत्वाचेर आदारून आसा. हाचे भायर, भारतांत अध्यापन आनी शिक्षक तयार करपाच्या सोदाचेर लक्ष केंद्रीत करता आनी ताच्या संदर्भांत, शिक्षक आनी अध्यापन दर्ज्याचीं व्याख्यां आनी मोलावणी करपाच्या कार्याचो आराखडो लेगीत दितात.

### अ) योग्यताय

शिक्षकां खातीर वेवसायीक मानकां तयार करतना, शिक्षणीक वेवसाया खातीर गरज आशिल्ल्या कौशल्यां खातीर मानकांच्या सामान्य मुखेल संचा कडेन लक्ष ओडून वता. योग्यताय म्हणल्यार

गिन्यान, कौशल्य हांचो सांगोड घालप. समजूतदारपण, मुल्यां, पळोवपाची नदर आनी इत्सा जाका लागून खंयच्याय खासा क्षेत्रांत, आकर्शीत, मूर्त मानवी कृती जाता.

### ब) डोमेन

शिक्षक गिन्यान आनी अध्यापन आचरण (अध्यापन-पूर्व, अध्यापना वेळार आनी अध्यापन-उपरांत) भितरल्या भितर लागीं आशिल्ले डोमेन आसात आनी दोनूय विश्वास, कौशल्य, संवाद करपाची तांक, वेवसायीक वळख, निती, मुल्यां आनी सभावा कडेन जोडिल्लीं आसात. सकयले तीन डोमेन मानक म्हणून वळखतातः

1. मुळावीं मुल्यां आनी निती
2. गिन्यान आनी आचरण
3. वेवसायीक वाड आनी विकास

### क) शिक्षक प्रोफायल

शक्य जाता तशें, बऱ्या शिक्षणा मदीं वाड आनी विकासाचें रूप दाखोवपा खातीर अध्यापनांतल्या कौशल्य सुदारणा आनी विकासाचीं कल्पना थारायतात- सुदारणां आनी वाड जावपा खातीर हावेस आनी मार्ग दोनूय स्थापीत करप, तशेंच वेवसायिकां कडल्यान पुराय करून घेवपाच्या उच्च मानकांक मान्यताय दिवपाचो आदार तयार करप. एनपीएसटी खातीर, सकयल दिल्ले तीन पांवडे शिक्षणाचे सगळे डोमेन आनी तांकीक लागू आसात- शाळेंतलें शिक्षण आनी विशय अध्यापन क्षेत्रांच्या वेगळया वेगळया पांवड्या मदीं. ह्या पांवड्याचो आनी तांच्या वर्णनांचो वापर शिक्षक किदें करूंक योग्य आसात आनी खंयच्या क्षेत्रांत ते फुडें विकसीत जावंक शकतात. हाचे विशीं एक नदर तयार करपा खातीर योग्य तें करूंक जाय. तशेंच शिक्षकांनी मेळयिल्ले योग्यतायेच्या पुराव्याच्या आदारान सकयल्या पांवड्यांचेर नियोजीत करूंक मजत जातली.

1. कुशळ
2. प्रगत
3. तज्ञ

एनपीएसटी हो एक मार्गदर्शक दस्तावेज आसा, जो उच्च-दरज्याचें शिक्षण तयार करूंक आनी तयार करूंक आशिल्ले सगळे जाळवणदारांक मजत करता. शिक्षक जावपाचो निर्णय ते अध्यापनाचो प्रवास, पुराय जायत मेरेन शिक्षकांक सरळ कौशल्याचो मार्ग मेळटा. दर्जो आशिल्ले शिक्षक घडोवपा खातीर शिक्षक, शिक्षण संस्थानांक मार्गदर्शन ह्या दस्तावेजा वरवीं करतात.

अध्यापन प्रोफायलाच्या खाशेल्या पांवड्याचेर वचपा खातीर पयलीं गरजेची क्षमताय म्हूण मानकांची व्याख्या आनी विभागणी केल्या. एक शिक्षक कौशल्य मेळोवन आनी मोख कारकीर्द पांवड्या मेरेन पावपा खातीर गरज आशिल्ले कौशल्याचे पुरावे सामायीक करूंक पयलींच्यो अटी पुराय करतले. एक

पांवड्याचो मानक पुराय केल्या उपरांत, एक शिक्षक प्रमाणीत जाता आनी उपचारीक नदरेन त्या पांवड्यार उदरगत करता. आनी शिक्षक शिक्षण अभ्यासांत मेळपी योग्यतायेक लागू करतलो आनी फुडल्या कारकिर्दीच्या पांवड्या खातीर क्षमतायेचेर काम करूंक सुरू करतलो.

शिक्षक शिक्षण कार्यक्रमात (टीईपी) कोणूय व्यक्तीच्या प्रवेशाच्या पयल्या दिसा सावनूच यशस्वी शिक्षणाची कारकीर्द करपाचो प्रवास आनी तयारी सुरू जाता. शिक्षणीक कारकिर्दीची तयारी करतना विद्यार्थी शिक्षकांनी सुरवातेच्या पांवड्यार खंयचीं कौशल्यां आपणावूंक जाय हाचो आराखडो तयार केला. म्हणून, जेन्ना संभव्यनीय शिक्षक शिक्षणीक वेवसायांत आसपाव जावपाचो निर्णय घेतले, तेन्ना तांकां एनसीटीई मान्यताय प्राप्त टीईआयंत प्रवेश दितले. शिक्षणाच्या वेवसायांत पयल्या कारकिर्दीच्या पांवड्यार पावपा खातीर गरज आशिल्ल्या कौशल्याच्या आदारान तयार जावपी अभ्यासक्रमाची माहिती ही संस्था विद्यार्थी शिक्षकांक दितले. नोकरेक लागचे पयलीं शिक्षक, शिक्षण संस्थांनी अभ्यसक्रम आराखडो आनी कार्यावळ करचे पयलींची पुराय करपाचीं थोडीं मानकां आसतलीं. विद्यार्थी शिक्षक तांचे सुरवेच्या शिक्षक प्रशिक्षणांत सातत्यान सराव आनी मार्गदर्शन आदारा वरवीं शिक्षण आनी शिकपाची प्रक्रिया प्रभावी रितीन आदार दिवंक शकता आनी चालीक लावपाक गरजेंचें गिन्यान, कौशल्य, मुल्यां आनी नदर विकसीत करतले.

एनईपी 2020 ह्या काळांत अशें नोंद केलां, दर एक शाळेच्या पांवड्या खातीर शिक्षक पात्रताय परिक्षा (टीईटी) ही विद्यार्थी शिक्षकां खातीर शिक्षकाच्या वेवसायांत प्रवेश करपा खातीर पयली अट आसतली. अशे तरेन, टीईटी अश्या उमेदवाराची मोलावणी आनी खात्री करतलो आनी थारायतलो, ताचो टीईटी प्रोफायल ताचे क्षमतायेचो विस्तार दाखयतलो. नवे शिक्षक शिक्षणीक वेवसायांत कायम रुजू जाल्या उपरांत ताका एनपीएसटी आदारीत कारकीर्द पांवड्याची तयारी करपा खातीर मार्गदर्शन करतले. शिक्षकाचे कार्यक्षमतेची निवड परफॉर्मन्स इण्डिकेटर्स (पीआय) वरवीं करतले जी वेवसाया खातीर आपणायिल्ल्या मानकां मदीं कामाची पातळी दाखयता. पांवड्या वांगडाच क्षमताय मेळोवपा खातीर सुमार पांच वर्सांचो काळ आसा. शिक्षकांची योग्यताय विश्वास आनी कामगिरी दर्शक राष्ट्रीय मार्गदर्शक मिशन (एनएमएम) कार्यक्रमा कडेन जोडटले आनी उत्कृश्ट शिक्षकांक मार्गदर्शकाच्या पंगडांत घालतले. ह्या वेगळया-वेगळया मनशां मदीं क्रॉस लर्निंगाचो फायदो घेवपाची संद मेळटा, जाका लागून तांचो वेवसायीक विकास जाता.

मेळिल्ले क्षमचेच्या आदारान शिक्षकांचे तीन वेग-वेगळे पांवडे सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसात.

### 1. कुशळ शिक्षक ( प्रवीण शिक्षक)

कारकिर्दीच्या ह्या पांवड्यार, शिक्षकान शिकवण आनी शिक्षणा खातीर गरजेचीं कौशल्यां दाखोवन दिवपा खातीर वेवसायीक नदरेन स्वतंत्र आसप अपेक्षीत आसा. कुशळ शिक्षकांक वेवसायीक विकास कार्यक्रम आनी तांच्या आचरणांत मेळिल्लें गिन्यान घटमूट करपा खातीर शाळेंतल्या मार्गदर्शकां कडल्यान मजत करतले. शाळेच्या पांवड्यार शिकोवपाची तरा सुदारपा खातीर मार्गदर्शक कुशळ शिक्षकांक मजत करतले. एकदां कुशळ शिक्षक, मेळयिल्ल्या कौशल्यांची अंमलबजावणी करूंक

कामगिरीच्या उत्कृश्ट पांवड्यार पावल्या उपरांत, ताका फुडल्या प्रगत शिक्षक पांवड्यार कारकिर्दीची तयारी करपा खातीर मार्गदर्शन करतले, शिक्षकांक फुडें सरपा खातीर, वेवसायीक विकासा खातीर संद दितले आनी त्याच शालेय पांवड्यार कुशळटाय मेळोवपाक आनी फुडले कारकिर्दी खातीर जोडिल्ले पुरावे विकसीत करूंक मार्गदर्शन करतले. शिक्षक तयार जाल्या उपरांत, ताका ताच्या कौशल्याची मोलावणी आनी प्रगत शिक्षक मोळोवपा खातीर मार्गदर्शन करतले. कुशळ शिक्षक अभ्यासक्रमाचो मजकूर तयार करप, साधनसामुग्री वेंचप, पाठ्यपुस्तकां अर्थपूर्ण रितीन वापरप, विद्यार्थ्यां खातीर सर्व सामावेशक अभ्यासक्रम, विद्यार्थ्यांची भलायकी आनी विकास जावपा खातीर काळजी घेवप, विद्यार्थ्यां कडेन संवाद सादप हें दाखोवन दितले. शिकपाची गरज; रोखडोच जाळवणदारां कडेन संवाद सादप- पालक आनी शाळा वेवस्थापन; लोकशाय, घटनात्मक मुल्यां आनी पद्धतीक चालना दिवप.

## 2. प्रगत शिक्षण (उन्नत शिक्षक)

ह्या कारकिर्दीच्या पांवड्यार, शिक्षकान अध्यापन-शिक्षण प्रक्रिये कडेन संबंदीत उत्कृश्ट पद्धतीचेर आदारून शिकोवपाच्या बऱ्या मानकांचें मूर्त रूप दिवपाची अपेक्षा आसा. शिकोवंक आनी शिकपाक गरजेची कुशळटाय वापरूंक तो/ती वेवसायीक नदरेन योग्य आसतले. प्रगत शिक्षक, कुशळ पांवड्यार शिक्षकांक पीअर लीडराची भुमिका घेतले. प्रगत शिक्षकांचे मुख्याध्यापक/ मुखेली/ वरिश्ट पदाधिकारी तांच्या सरावा खातीर निरिक्षण करतले आनी ताचे प्रमाणें तांकां प्रशिक्षण दितले. प्रगत शिक्षक फुडल्या कारकिर्दीच्या पांवड्या खातीर तयार जाल्या उपरांत तज्ञ शिक्षक दर्जो मेळोवपाक तांकां मार्गदर्शन करतले. ह्या कारकिर्दीच्या पांवड्यार ताका चड एजन्सी वांगडा अर्ज करूंक, जुळोवन घेवंक आनी कार्य करूंक जाय तशें समजून येतले. विशयाच्या मळार विकासाची जाणविकाय आसप, कुशळटाय एकठावप आनी नवो अभ्यासक्रम मजकूर घेवन काम करप, अभ्यासक्रमांचो आशय पळोवप. विद्यार्थ्यांचो खासगी तशेंच वेगळया वेगळया शिक्षणाच्यो गरजो भागोवंक योग्य आसप, शिकोवपाचो संदर्भ समजून घेतल्या उपरांत ताचेर चिंतन, तुळा करप, नवो बदल करप आनी समस्या सोडोवप. रोखडेंच, मध्यम आनी दिर्घकाळा खातीर विद्यार्थी शिकपा खातीर तीं उद्दिश्टां पुराय करूंक आव्हानांक तोंड दितलो आनी शाळेंत तशेंच भायर वेग-वेगळया जाळवणदारां वांगडा काम करूंक तो परिपूर्ण आसतलो.

## 3. तज्ञ शिक्षक (कुशळ शिक्षक)

ह्या पांवड्यार, शिक्षकांनी मार्गदर्शक वा पीयर लीडराचे भुमिके खातीर आडवाद क्षमताय आशिल्लो सगळयांत उंचेलो दर्जो तसोच तिगोवन दवरपाची आस्त आसा आनी दुसऱ्या शिक्षकांक तांची क्षमताय सुदारूंक तशेंच शाळेच्या वेवसायीक विकास कार्यावळीची जबाबदारी घेवंक मजत करतले. हे कारकिर्दीच्या पांवड्यार, शिक्षक सातत्यान आपलें उत्कृश्ट सादरीकरण दितलो. ताची शिकोवपाची पद्द्त, एकचारान काम करप आनी सहकाऱ्यां वांगडा सराव करून मार्गदर्शन करप. ताचे भायर, एक तज्ञ शिक्षक आपल्या शिक्षणाच्या गरजांचेर आनी तांच्या आदाराचेर, विद्यार्थ्यांच्या गरजांचेर विचार

करून, स्वताचें वेवसायीक गिन्यान आनी आचरण वाडोवपाचो सदांच यत्न करतलो. तज्ञ शिक्षक एकेच पिरायेच्या निरिक्षणांत भाग घेवंक जाय. स्वताच्या आनी दुसऱ्याच्या शिकपाची जबाबदारी आसतली. तज्ञ शिक्षक फुडल्या कारकिर्दीच्या पांवड्यार पावपा खातीर दुसऱ्यांक मार्गदर्शन करतले. कुशळटाय मेळोवपा खातीर आनी फुडल्या कारकिर्दीच्या पांवड्या कडेन लागपा सारको पुरावो विकसीत करपा खातीर तांकां मार्गदर्शन करतले. शाळांनी शिकपी समाजाक विकसीत करून स्वताची आनी दुसऱ्यांची शिकोवपाची तरा सुदारपाची आडवादात्मक तांक तो/ती दाखयतलो.

## 3.3 योग्यतायेची वाड आनी विकास

वर्णन केल्ल्या सगळया वेवसायीक क्षेत्रांत तांकीची वाड आनी विकास दोनूय शक्य आनी अपेक्षीत आसात. ही वाड आनी विकास शिक्षणा कडेन संबंदीत सगळे तरेचे क्षमतेक लागू जाताः गिन्यान, पळोवपाची नदर, विश्वास, कौशल्य, सभाव, मुल्यां, शिक्षणाचो आशय/ विशय, शिकप्याची आकलन शक्त, समाज, शिक्षणाचीं तत्वगिन्यांनी उद्दिश्टां आनी हेर. विस्तारान पळयल्यार अशे तरेची वाड जावपाचे तीन मार्ग आसातः


अ) **अणभव** शिक्षकांक शिकोवपाच्या सरावा विशीं चड समजता, ताचें गिन्यान खोलायेन आशिल्लें, सिध्दांत आनी विश्वास, संदर्भ, विद्यार्थी आनी शिकपाची क्रिया तशेंच शिक्षणीक उद्दिश्टांचो, ताचो समज आशिल्लो. सुरवात, शिक्षकांचें लक्ष अध्यापनाच्या वेळापत्रा कडेन चड वळखीचो आसपाच्या आनी वेगळया वेगळया वेवसायीक आनी कामाच्या जाग्याची संवय लागपाच्या गरजे वरवीं घेतात, जे खंयच्याय वेवसाया खातीर सामान्य आसा. सवकास, सगळया विद्यार्थ्यां खातीर शिक्षण आनी योग्य शिक्षण आनी शिक्षणीक उद्दिश्टां साध्य करपाच्या मुखेल कार्यांत घुसपून उरपा खातीर तकलेंत कसलेच विचार आसूंक जायनात. सेवा-पूर्व शिक्षक शिक्षणाच्या पांवड्यार “सिध्दांतीक” शिक्षणाचें म्हत्व आनी मुल्यां लेगीत शिक्षकां कडल्यान चड स्पश्ट आनी मोलाचें थारता. शिक्षकांक वेवसायीक परिचय आनी वेवसायाची समजणी परिपूर्ण आसता. सगळे शिक्षक अणभवांतल्यान शिकतात आनी स्वताचो विकास करतात.

ब) **उत्तेंपण आनी परस्परक्रियाः** वेवसायीक अध्ययनाचें समाजीक रूप आतां चडांत चड आपणायतात. वांगड्यां बरोबर उलोवन शिकप आनी दुसऱ्यो गजाली कश्यो करतात हाचे भायर दुसऱ्यो गजाली शिक्षकां खातीर शिकपाची आनी वाडीचे म्हत्व हो गरजेचो स्त्रोत आसा. परिशदी आनी कार्यशाळांनी वांटेकार जावप, सराव आनी वेवसायीक शिक्षणाच्या समाजाचो भाग जावप आनी शिक्षणा भायर दुसऱ्या कामाच्या जाग्यार इव्हेंट एक्सपोझर शिक्षकांक पडबिंबीत करपाची आनी शिकपाची संद दिता.

ड) **सातत्यान वेवसायीक विकासः** कार्यशाळा, क्षमता तयार करपाचें सत्र, कौशल्य वाडोवपी कोर्सेस- सातत्यान वेवसायीक विकासा खातीर ऑनलायन आनी ऑफलायन नवें गिन्यान, पद्दत शिकपाची वा नवीं कौशल्य क्षेत्रां आनी क्षमता विकसीत करपाची संद दिता, एकवटान क्षमता विकसीत करता जाका लागून कारकिर्दीचे नवे मार्ग तयार जातात. अशे तरेन, दोनूय नव्या क्षेत्रां विशीं समजून घेवपाची आनी चड कुशळटाय विकसीत करपाची ही एक म्हत्वाची संद आसा.

## 3.4 शिक्षकां खातीर राष्ट्रीय वेवसायीक मानकां (एनपीएसटी)

सादारणपणान, प्रभावी मार्गान शिक्षणाच्या दर्ज्याचीं व्याख्यां आनी नकासो तयार करपा खातीर मानकां कडेन पळयतात. ते बरे शिक्षण दाखयतात, तशेंच "मानकां पुराय करप" म्हणल्यार किदें हें वळखतात. वेवसायीक नदरेन, ह्या मानकांची विभागणी ताचो हेतू आनी कव्हरेजाच्या आदारान करतात. हीं मानकां सामान्य आसूंक शकतात वा वेव्हाराच्या संबंदीत डोमेन खातीर खाशेलीं आसूंक शकतात. कारकिर्दीच्या वेग-वेगळ्या पांवड्यांचेर शिक्षकां खातीर सगळें अध्यापन वेवसायिकांक एकठांय वा चडांत चड आसपाव करून कुशळ ते गिन्यानी सराव पांवड्या मेरेनचो रोडमॅप दिवपी मुळावे पद्धतींतल्यान ही व्याख्यां करूंक शकता.




चित्र. 2 वेवसायीक मानकां आनी क्षमतेचें रेखाटण

एनईपी 2020 ची मोख पुराय करपा खातीर, नोंद केल्या प्रमाणें तीन क्षेत्रां मदलीं मानकां शिक्षक वेवसायिकांची पुराय जीणभर कारकीर्द उत्क्रांतीचो आसपाव करपा खातीर, विस्तारान व्याख्यां केल्या. एनसीईआरटी, एससीईआरटी, अश्या वेग-वेगळ्या पांवड्या वयले आनी भाठारांतले शिक्षक, शिक्षकाची तयारी आनी विकास जावपी तज्ञ संघटना, तज्ञ संस्था आनी उच्च शिक्षण संस्था हांचे कडेन चर्चा करून एनपीएसटीचो एक सारको मार्गदर्शक संच तयार केला.

# 4 शिक्षकां खातीर वेवसायीक मानकां (एनपीएसटी) बांदावळ

शिक्षकां खातीर वेवसायीक मानकां बांदावळीच्या कारकीर्द परिमाणाचें वर्णन शिक्षकांच्या कामाच्या खासा दिश्टीकोणा वरवीं करूंक शकतात. "मानकांच्या" नांवान तीन परस्पर संबंदीत भागांनी ही बांदावळमांडल्या, जातूंत वर्णन केल्ल्या प्रमाणें खुबश्या क्षेत्रांचो आसपाव आसा.

**4.1 मानक 1: मुखेल मुल्यां आनी निती-** ह्या मानकांनी शिक्षकांनी विकास करपाची गरज आशिल्लीं मुळावीं मुल्यां आनी निती विशीं संबंदीत क्षेत्राचो आसपाव आसतलो. शिक्षकी वेवसायांत मुळावीं मुल्यां आनी निती हाचो म्हत्वाचो वांटो आसा. तीं मार्गदर्शक तत्वां जावन काम करतात, जे शिक्षकांच्या मुल्यांचो वेवसायीक विकासाचो आकार दितात जशें सत्यताय, वेवसायिकताय, प्रामाणीकपण, आदर, विस्वास आनी वर्गांत एकामेका मदीं समजूतदारपण आनी शिक्षकांक तांचें शिक्षणीक कौशल्य आनी सदांकाळ शिकप सदांच उदरगतीक पावोवंक मजत करतात. हीं मुळावीं मुल्यां आनी नितीमत्ता सांबाळून शिक्षकांचो एकवट आनी सगळयांचो आसपाव आशिल्ली बुन्याद तयार करता.




चित्र.3 मुळावी मुल्यां आनी नितामत्तेचें रेखाटण

**4.2 वर्ग 2: गिन्यान वा सराव-** ह्या मानकान कारकिर्दीच्यादर एका पांवड्यार प्रभावीपणान कार्य करपा खातीर शिक्षकाक आपल्या विद्यार्थ्यां विशीं आनी अध्यापन – शिक्षणा विशीं सदांच खबर आसप आनी समजून घेवप अपेक्षीत आसा हाचे संबंदांत विशयाचो आसपाव आसा. अध्यापन-अध्यापन क्रिया आनी शिकपाची मोलावणी करतना शिक्षक भुरग्यां खातीर योग्य शिक्षणाचो अणभव कशे तरेन आकारतात हाचो लेगीत नकासो वा मानकां आसात. शिक्षक गिन्यान आनी वेव्हाराचें क्षेत्र व्हड आसा आनी तातूंत विशय गिन्यान आनी संबंदीत शिक्षणीक संदर्भ गिन्यान, विशय सादर करपाच्या मार्गाचें गिन्यान,शिक्षणीक उद्दिश्टां आनी राष्ट्रीय शिक्षणीक प्रणाली, धोरणां आनी इतिहासाचें गिन्यान, शिक्षण सिध्दांताचें गिन्यान आनी शिकपी संदर्भाचें खासा गिन्यान आनी शिक्षणीक पध्दतीचें गिन्यान हाचो आसपाव आसा. गिन्यान आनी सरावा मदीं एक गजाल करपाची क्षमता, सभाव आनी एजन्सीची संवेदना आसपाविल्ली आसाः विद्यार्थ्यांक सगळे वटेन आसपावप आनी अर्थ आशिल्लो वेव्हार करप, येवजण थारावप, शिकोवप, मोलावणी करप आनी प्रतिबिंबीत करप, वेंचून काडप, विकास करप आनी वापर करप, साधनसामुग्री, वर्ग, ग्रंथालय, प्रयोगशाळा,

भोंवडी, वारांद आनी खेळाचें मैदान हाचे वांगडाच वेग-वेगळया अभ्यासक्रमांच्या सायटींचेर शिकपाचे अणभव डिझायन करप, पुराय करप आनी सगळया विद्यार्थ्यांक सगळे तरेन शिकपा खातीर आनी विकास करूंक मजत करप.




चित्र.4 गिन्यान आनी सरावाचें रेखाटण

**4.3 मानक 3: वेवसायीक वाड आनी विकास** हें मानक सदांच वेवसायीक विकास (सीपीडी) कार्यावळींत वांटेकार जावन दर एका कारकीर्द पांवड्यार वेवसायीक गिन्यान/ क्षमता आनी सराव सुदारपा खातीर शिक्षकांनी किदें करपाची आस्त आसा हाचे संबंदांत क्षेत्राचो आसपाव जाता. वेवसायीक म्हणून, शिक्षकान ताचे वेवसायीक वळखीक म्हत्व दिवप गरजेचें आसा आनी ताची क्षमता वाडोवपा खातीर आनी विकासाक पावोवपा खातीर सातत्यान यत्न करप गरजेचें आसा. ह्या दस्तावेजांत वापरांत येवपी क्षमतेच्या ऑपरेशनल व्याख्येंत स्पश्ट केल्ले प्रमाणें, योग्यताय वा सगळया प्रकाराचें गिन्यान, सभाव आनी क्षमतेचो आसपाव करता.




चित्र.5 वेवसायीक वाड आनी विकास हाचें रेखाटण

| मानक 1: मुळावीं मुल्यां आनी नितीमत्ता | | | |
|---|---|---|---|
| मुखेल मुल्यां वेवसायीक नितीमत्ता, जें शिक्षकांनी सादर करप अपेक्षीत आसा | | | |
| **क्षेत्र** | **कुशळ शिक्षक** | **प्रगत शिक्षक** | **तज्ञ शिक्षक** |
| देशाच्या संविधानांत नोंद केल्लीं कायदेशीर मुल्यां | घटनात्मक मुल्यांच्या संदर्भांत तर्क करपाची क्षमता, आद्यताय प्रतिबिंबीत करपाची आनी समजावन सांगपाची क्षमताय | | |
| | नैतीक, जापसालदारकेन माहिती वापरपाची तांक आनी विद्यार्थ्यांचो स्वाभिमान सुनिश्चीत करपाची तांक | | |
| | भारतीय संविधानाच्या कलम 51 अ हातूंत दिल्ल्या मुळाव्या कर्तव्यां विशीं जागृताय आनी आचरण | | |
| | विरोधी परिस्थितींत कायदेशीर बंधनां, नेम, नियम, धोरणां आनी नैतीक नदरेन कारण समजून घेवपाची तांक आनी गुंतागुंतीच्या वातावरणांत वाटाघाटी करपाची तांक | | |
| वेवसायीक संबंद | शिकपी लोकां खातीर सह-अभ्यासक्रम संद आरंभ करपा खातीर हेर वेवसायीक आनी संघटणां कडेन संवाद सादप | | |
| | भुरग्यांच्या समग्र विकासांत पालक आनी समाजाची भुमिका मान्य करप आनी समजून घेवप | | |
| | संसाधनां वांटपा खातीर स्वताची शाळा आनी हेर संस्था आनी समाज हांचे मदीं परस्पर संबंद दवरपाची तांक आनी हेर. | | |
| | शाळे भितर आनी भायर वेग-वेगळ्या जाळवणदारां कडेन संबंद दवरपाची आनी गुंतागुंतीच्या आनी आव्हानात्मक वातावरणांत वाटाघाटी करपाची तांक | | |
| | सगळ्या विद्यार्थ्यां खातीर समावेशकपणान शिक्षणीक ध्येय साध्य करपा खातीर संस्था कार्यक्षम आनी प्रभावीपणान काम करूंक सक्षम करपा खातीर ध्येय आनी रणनिती थारावपाची तांक आनी शाळेच्या सगळ्या वांगड्यांक फावो तें कामाचें वातावरण आनी बरेंपण सुनिश्चीत करपाची तांक | | |

| मानक 2: गिन्यान आनी सराव | | | | |
|---|---|---|---|---|
| वर्गांतल्या प्रभावी शिक्षणीक पद्दतींचे नदरेन किदें जाणून घेवप, समजून घेवप आनी करूंक सक्षम आसप अशी अपेक्षा आसा | | | | |
| **क्षेत्र** | **उप क्षेत्र** | **कुशळ शिक्षक** | **प्रगत शिक्षक** | **तज्ञ शिक्षक** |
| वळखून घेवप. दरेका भुरग्याच्यो खाशेल्यो क्षमता वळखप, आनी पोसवण दिवप | भुरग्यांचो विकास आनी शिकपाचेर परिणाम | विकासाच्या वेग-वेगळ्या पांवड्यांक आनी वाठारांक (संज्ञानात्मक, भाशीक, समाजीक, भावनीक आनी शारिरीक) संबंदीत सिध्दांतांची समज | मनशां खातीर शिक्षण आनी विकासाचे पांवडे वळखुपा खातीर भुरग्यांच्या विकासा खातीर गिन्यान आनी समजिकायेचो वापर करप. | एकेच पिरायेच्या भुरग्यांच्या विकासाच्या सिध्दांताचे अनुप्रयोग करप. |
| | शिकप्याची विविधताय | वेग-वेगळ्या शिकपी विविधतायेची (शिकपाची शैली, शिकपाच्यो गरजो, समाजीक-आर्थीक परिस्थिती,संस्कृताय,भाशा, कुटुंबीक बांदावळ आनी हेर) हाचो स्पश्टपणान समज विकसीत करप आनी शाळेंत तशेंच वर्गांत विविधताये कडेन लक्ष दिवचें | विद्यार्थ्यांच्यो वेगळयो वेगळयो गरजो पुराय करपा खातीर आनी सगळो आसपाव आशिल्लो वर्ग तयार करपा खातीर गिन्यानाचे साधनसामग्रीचो वापर करप. | वर्गांतल्या अणभवाच्या आदारान विद्यार्थ्यांच्यो खासगी वेगळयो वेगळयो गरजांचें निदान आनी तें दाखोवन दिवपाची क्षमता. |
| | अपंगत्व आशिल्ल्या विद्यार्थ्यांच्यो आनी मंद बुद्धीच्या विद्यार्थ्यांच्यो शिकपाच्यो गरज | वेग-वेगळ्या तरेचें अपंगूळपण आनी तांच्यो विशेश शिकपाच्यो गरजो, तशेंच हुशार भुरग्यांच्यो गरजो गिन्यानाची वळख आनी तांच्या शिक्षणांत आदार दिवपा खातीर मांडणी आंखप. | वर्गांतल्या वेग-वेगळ्या विद्यार्थ्यांच्यो गरजो वळखुपा खातीर आनी तें आंखून घेवपा खातीर खाशेल्या गरजांच्या गिन्यानाचो वापर जावप | तज्ञांच्या मध्यस्थीची गरज आशिल्ल्या विशयाची गरज वळखपाची क्षमताय आनी अश्या परिस्थितीक कशें तोंड दिवप हाचे विशीं सहकार्यांक इनपूट दिवपाची क्षमता आसूंक जाय. |
| गिन्यान कल्पना विशयक समजणी आनी विशय अर्ज | | विशय क्षेत्राचें गिन्यान समजून घेवप आनी ताचो वापर करूंक क्षमताय दाखोवप. | आंतरीक आनी आंतरीक विशयाचो मजकूर जोडून तो लागू करप आनी थळावे तशेंच थळावें गिन्यान एकठांय करप. | विशय क्षेत्रांतल्या घडणुकां कडेन लक्ष दवरप आनी अभ्यासक्रम वेव्हारांत नव्यो संकल्पना हाडप. |
| अभ्यासक्रम | अभ्यासक्रमांची चौकट | अभ्याक्रमांचीं उद्दीश्टां आनी विशय/ शाखेंच्या अभ्यासक्रमांच्या चौकटीची स्पश्ट समजिकाय विकसीत करप. | आंतरीक विशय आशिल्ल्या अभ्यासक्रमांचो संबंद समजून घेवपा खातीर आनी उदरगत करपा खातीर सहकाऱ्याचो आदार. | सद्याची उदरगत आनी नव्या गिन्यानाचो विचार करून अभ्यासक्रम वेव्हारांत बदल जाला. |

| मानक 2: गिन्यान आनी कृती | | | | |
|---|---|---|---|---|
| वर्गांतल्या प्रभावी शिक्षणीक पद्धतीच्या संदर्भांत शिक्षकां कडल्यान किदें जाणून घेवप, समजून घेवप आनी करूंक योग्य आसप गरजेचें आसा | | | | |
| **क्षेत्र** | **उप क्षेत्र** | **कुशळ शिक्षक** | **प्रगत शिक्षक** | **तज्ञ शिक्षक** |
| विद्यार्थ्यांच्या शिक्षणा खातीर मजकूर विकसीत करप | उपदेशात्मक/ शिक्षणीक मांडणी आनी शिक्षणीक वर्गीकरण | सामान्य आदेशात्मक मांडण्यो समजून घेवप, शिक्षणांत वापरपी शिक्षण वर्गीकरणां वापर आनी सामान्य शिक्षणीक पद्दत आनी संसाधनां. | स्वताचो विशय /शिक्षणीक क्षेत्रांत शिक्षण विभागणी आनी शिक्षणीक मांडणीचो वापर करून विकासाचे नदरेन योग्य शिक्षम उद्दिश्टां /परिणाम विकसीत करप. | आकर्शक पाठ्य येवजण तयार करपा खातीर शिकपाचे सिध्दांत, आदेशात्मक/ शिक्षणीक मांडणी आनी शिकपाच्या विभागणीचो वापर निवडपा खातीर सहकाऱ्यांक मार्गदर्शन करचें. |
| | वेगळायिल्ल्यो सुचोवण्यो/ शिकवण | वेग-वेगळ्यो सुचोवण्यो/ शिकवणीची मांडणी आनी शिकपांत विद्यार्थ्यांचो आसपाव वाडोवंक तांची पात्रतायेचीं स्पश्टपणा आनी समजणी दाखोवन दिवप. | विद्यार्थ्यांक शिक्षणांत घुसपावून दवरपा खातीर वेग- वेगळ्या सुचोवण्यांचो वापर. | चड विद्यार्थी वांटेकार जावपा खातीर विकासाचे नदरेन योग्य वेग-वेगळे उपक्रम आनी मांडणी तयार करपा खातीर सहकाऱ्यांक मार्गदर्शन करचें. |
| | चिकित्सात्मक विचार, सर्जनशील विचार आनी उंचेल्या पांवड्या वयल्या विचारांचीं कौशल्यां हाचे सारकीं जीवन कुशळटायो विकसीत करपा खातीर मांडण्यो आनी साधनां. | चिकित्सात्मक आनी सर्जनशील विचार आनी दुसऱ्या उंचल्या पांवड्या वयलीं विचार कौशल्यां विकसीत करप्यांच्या सामान्य शिक्षणीक मांडणेची खोलायेन समज दाखयात. | अशीं कौशल्यां विकसीत करपा खातीर योग्य शिक्षणीक मांडणेचो वापर करप. | ह्या क्षेत्रांत हालीं सराक घडणुकांच्या गिन्यानाचेर आदारून नवी शिक्षणीक मांडणी तयार करची. |
| शिक्षणीक आराखडो | शिकपाची मोख आनी उद्दिश्टां | मेजपा सारकीं आनी मेळोवन दिवपा सारकीं शिक्षणीक उद्दिश्टां आनी तीं उद्दिश्टां समजून घेवप. | अभ्यासक्रमांकाचे बांदावळींत सारको आशिल्ल्या विशया खातीर मेजूंक येवपा सारकें आनी मेळोवन दिवपा सारकीं शिकपाचीं उद्दिश्टां आनी ध्येय तयार करचें. | उच्च अपेक्षा थारावपाची क्षमता आनी फुडें पुराय करपाची मोख विकसीत करप, विद्यार्थ्यांच्यो वेग-वेगळ्यो गरजो पुराय करप आनी तांच्या पुराय विकासाचो विचार करप. |
| | शिकपाच्या अणभवांचो आराखडो | खंयच्याय विशेश शिक्षणाच्या उद्देशा खातीर शिकपाची येवजण विकसीत करपाची क्षमता | दर एका विद्यार्थ्याच्या गरजांचो आसपाव करून वेगळे तरेची शिक्षणीक येवजण तयार करची. | अभ्यासक्रमाचेर आदारीत तांचें मदीं जोडिल्ली शिक्षण येवजणेची सांखळ तयार करपाची क्षमता. |

| मानक 2: गिन्यान आनी कृती | | | | |
|---|---|---|---|---|
| वर्गांतल्या प्रभावी शिक्षणीक पद्धतीच्या संदर्भांत शिक्षकां कडल्यान किदें जाणून घेवप,समजून घेवप आनी करूंक योग्य आसप गरजेचें आसा. | | | | |
| **क्षेत्र** | **उप क्षेत्र** | **कुशळ शिक्षक** | **प्रगत शिक्षक** | **तज्ञ शिक्षक** |
| शिकपा खातीर आनी मोलावणी | निर्धारणेची कार्यनीत | वेग-वेगळ्या तरेच्यो निर्धारण कार्यनीती आनी साधनां समजून घेवप | विद्यार्थ्यांच्या शिक्षणाच्या गरजे प्रमाणें योग्य निर्धारण कार्यनीत निवडप. | संघटणात्मक, राज्य आनी राष्ट्रीय पांवड्याचेर निर्धारण कार्यनीतीचें गिन्यान प्रदर्शीत करचें. |
| | निर्धारणेचो डेटा | निर्धारणाच्या आंकडेवारींतल्यान विद्यार्थ्यां विशीं अवगाहन शक्त मेळयात. | मोख निश्चीत करपा खातीर आनी शिक्षण येवजण तयार करपा खातीर निर्धारण डेटा वापरचो. | विद्यार्थी/ वर्गाच्या कार्याचें एकवटीत दृश्य तयार करपा खातीर चडश्या स्त्रोता कडल्यान डेटाचो फायदो घेवप आनी योग्य उपचारा वरवीं शिक्षणाक तेंको दियात. |
| | संवाद आनी प्रतिक्रिया | विद्यार्थी आनी पालकां कडेन विद्यार्थ्याच्या कार्याच्या माहिती विशीं चर्चा करप आनी प्रगती विशीं प्रतिक्रिया दिवप | विद्यार्थी पालक आनी देखरेख करप्या वांगडा विद्यार्थ्याच्या कार्या विशीं खासा प्रतिक्रियेचो आसपाव करचो | विद्यार्थ्याच्या शिक्षणाक मार्गदर्शन करपा खातीर पालक आनी समाजांतल्या वांगड्या कडेन आदार घेवचो. |
| तंत्रगिन्याना चो वापर आनी शिक्षणांत एकत्रीभाव | | शिक्षणांत तंत्रगिन्यानाची भुमिका समजून घेवप. | अध्यापन-शिक्षण, निर्धारण आनी वर्ग वेवस्थापनाक तेंको दिवपा खातीर आयसीटी साधनां वापरचीं. | आपल्या खातीर आनी वांगड्या खातीर अध्यापन-शिक्षणाक आदार दिवपा खातीर योग्य तांत्रीक संसाधना तयार करचीं. |

| मानक 2: गिन्यान आनी कृती | | | | |
|---|---|---|---|---|
| वर्गांतल्या प्रभावी शिक्षणीक पद्धतीच्या संदर्भांत शिक्षकां कडल्यान किदें जाणून घेवप,समजून घेवप आनी करूंक योग्य आसप गरजेचें आसा. | | | | |
| **क्षेत्र** | **उप क्षेत्र** | **कुशळ शिक्षक** | **प्रगत शिक्षक** | **तज्ञ शिक्षक** |
| वर्ग घटक आनी गतिशास्त्र | सुरक्षीत,पोसवण आनी शिक्षणाक आदार जावपा सारकें वातावरण | सुरक्षीत आनी सगळ्यांचो आसपाव आशिल्लो वर्ग तयार करपा खातीर सुविधा आनी संसाधनांची वेवस्था करची. | सगळ्यांचो आसपाव आनी सहाय्यक शिक्षण वातावरण तयार करप, जातूंत विद्यार्थ्यांक भंय नासतना आपले विचार मांडूंक प्रोत्साहन दिवप हाचो आसपाव आसा. | सुरक्षीत आनी सगळ्यांचो आसपाव आशिल्लो वर्ग विकसीत करपा खातीर विद्यार्थ्यांक वांटो घेवंक लावप |
| | वर्ग वेवस्थापन | वर्ग वेवस्थापन पद्धतीचें गिन्यान आनी तांचो वापर करपाची क्षमता दाखोवप. | विद्यार्थ्यांच्या वागणुकेंत वेगळेंपण समजून घेवप आनी आसपावून घेवप. | विद्यार्थ्यां मदीं स्वंय-शिस्त, व्यक्तीगत जबाबदारी आनी मुखेलपण विकसीत करचें (आदर्श) |
| | वर्गांतलो प्रभावी संवाद | वेग-वेगळे शाब्दीक आनी अशाब्दीक वर्ग संवाद मांडणी समजून घेवपाची क्षमता मेळयात. | वांटेकार जावन शिकोवप जावपा खातीर वेग-वेगळ्यो शाब्दीक आनी अशाब्दीक वर्ग संवाद मांडणेचो वापर करप आनी ताका प्रतिसाद दिवप. | वर्गांत संवाद बरो जावपा खातीर वांगड्यांक आदार/ मार्गदर्शन करपा खातीर रचनात्मक प्रतिक्रिया दियात. |
| | भाशीक विविधताय आनी भोव-भाशिकताय | भाशीक विविधताय आनी संबंदीत भाशेंतली कुशळटाय घेनासतना सगळ्या भुरग्यां खातीर सगळ्या तरेचो आसपाव दाखोवन दिवप. | अध्यापन आनी शिकवण सोपी करपा खातीर वर्गान भोवभाशीकतायेचो वापर करपा खातीर वांगड्यांक मजत करात. | एकाच पिरायेच्या भुरग्यां मदीं अध्ययन आनी शिकवण सोंपें करपा खातीर भोव-भाशीकतेच्या वापराचें समर्थन करचें. |

| मानक 3: वेवसायीक वाड आनी विकास | | | |
|---|---|---|---|
| वेवसायीक सरावांत विकास आनी वाड करपाची क्षमता | | | |
| **विभाग** | **कुशळ शिक्षक** | **प्रगत शिक्षक** | **तज्ञ शिक्षक** |
| शिक्षणीक गरजो | शिकपाच्यो गरजो वळखप आनी आपल्या वेवसायीक विकासा खातीर उद्दिश्टां निश्चीत करचीं. | भागधारकां कडल्यान मेळिल्ले माहितीच्या आदारान वेवसायीक विकास येवजण तयार करची. | आराखडो करचो आनी वांगड्यांक वेवसायीक विकासा खातीर संद दिवची. |
| प्रतिबिंबग्राही आचरण | विचारात्मक पद्धतीची समजणी दाखोवप. | स्वताच्या शिकोवपाचे पद्दतींत बदल करपा खातीर चिंतनशील पद्धतीचो वापर करचो. | चिंतनशील पद्धतीचो वापर करता तेन्ना वांगड्यांक फाटबळ/ मार्गदर्शन |
| शिकपी समाजांत वावरप आनी सहभाग | शाळेच्या भितर आनी भायर शिकपाचे संदींत वांटेकार जावचे. | तांचें संशोधन आनी शिक्षणीक परिशदो, चर्चा सत्रां वा वॅबिनारांत सादर करचें. | शाळेंत शिक्षण समाज चालू करप आनी वेवसायीक विकास सत्रां आयोजीत करप |

# 5 चालीक लावप

एन.सी.टी.ई त राष्ट्रीय शिक्षक गुणवत्ता केंद्र (एन.सी.टी.क्यू) ह्या डिजिटल व्यासपिठाची स्थापणूक केल्या, जातूंत शिक्षकां खातीर भांडार आसतलें आनी एन.पी.एस.टी चे कारवाये खातीर ते जापसालदार आसतले. फुडें, चड संसाधन व्यक्ती/ संस्था तयार करपा खातीर जाळवणदार/ अंमलबजावणी करपी वा चालीक लावपी संस्थेची क्षमताय बांदावळीचो कार्यक्रम हातांत घेतले. एन.पी.एस.टी मार्गदर्शक दस्तावेज अंमलबजावणी आनी परिणामाचें मोलावणी केंद्र सरकाराचे मालकीचे 75 शाळांनी (25 के.व्ही.एस + 25 एन.व्ही.एस +25 सी.बी.एस.ई) पुराय देशांत 1175 शिक्षकां वांगडा प्रयोगीक तत्वांचेर केलां. सकयल नोंद केल्ले प्रमाणें प्रयोगीक कार्यावळींचीं उद्दिश्टां पुराय जाल्यांतः

- शिक्षकांची क्षमता पांवडो आनी योग्यतायेचो पांवडो वळखप
- शिक्षक कौशल्य/ क्षमताय आनी अध्यापन पद्धतीचेर एन.पी.एस.टी चो प्रयोगीक परिणाम मेजप.
- एन.पी.एस.टी चे चालीक लावपाचे मांडणीचेर जाळवणदारांची प्रतिक्रिया एकठांय करप.

## 5.1 कार्याचो आराखडो

एन.पी.एस.टी त शिक्षकांचे गुणवत्तेचें मॅपिंग करपा खातीर मानकां स्पश्टपणान व्याख्या करून आनी शिक्षकांक तांची क्षमता सुदारपा खातीर विकास मार्ग सुचोवन शिक्षणांत चडांत चड बदल करपाची क्षमता आसा. एन.पी.एस.टी चे प्रयोगीक तपासणे वेळार अंमलबजावणेची येवजणेची संकल्पना आनी तपासणी नियंत्रीत पद्धतीन केली. अमलबजावणेच्या कार्यांत सकयल दिल्ले पांवडे आसपाविल्ले आसातः

- लक्ष्य पंगडाची नोंदणी
- वळख-.
- मानकांचो वापर – शिक्षक कारकिर्दीचो स्तर वळखप.
- गुणात्मक निर्धारण

एन.पी.एस.टी प्रमाण, शिक्षकांनी तांचे पुराय अध्यापन कारकिर्दींत तांचें कौशल्य आनी क्षमता विकसीत करप गरजेचें आसा. शिक्षक स्वता निर्धारणाची साधना तशेंच दुसरी निर्धारणाच्या साधनांच्या आदारान तांचे क्षमतेचो आराखडो तयार करूंक शकतले. औपचारीक मोलावणेंत शिक्षक क्षमता विभाग विकसीत करप आसपाविल्लो आसा, जातूंत अध्यापन कामाचो पुरावो, वर्ग प्रातयक्षीक (वर्ग), जाळवणदारां कडल्यान प्रतिक्रिया (360 अंश) आनी/वा एका वयाच्या आनी मार्गदर्शकां कडल्यान परिक्षण अहवाल हाचो आसपाव आसतलो. चांचणी/ निर्धारणा खातीर साधना/ साहित्य, जातूंत कामगिरी निर्देशकांचे (पी.आय) स्वरूप आनी हेरांचो आसपाव आसा, अध्याय-6 हातूंत दिल्ली सुचोवणी आशिल्ल्या निर्धारमाचे चौकटीचेर आदारून विकसीत करूंक शकतात.

एन.पी.एस.टी लागू करपा खातीर कृती आराखडो सकयले दिल्ले प्रमाणें आसाः

अ) एनपीएसटी मार्गदर्शक दस्तावेजाचें लोकार्पण आनी चालीक लावपाची संस्था/ एजन्सीची क्षमता वाडोवप.

व) एनपीएसटी मार्गदर्शक दस्तावेज राज्यां/ केंद्र शासीत प्रदेश लागू करून घेतात.

क) एनईपी 2020 च्या परिच्छेद 5.20 त उल्लेख केल्ल्या प्रमाणें, शिक्षक वेवसायीक विकास, क्षमता निर्मिती, प्रशिक्षण वरवीं एनपीएसटीचें एकत्रीकरण करप.

ड) शिक्षकांक क्षमता मेरेन पावपा खातीर संसाधनां/ साहित्य-सामुग्री/ स्वयं-विकास मार्गदर्शक तत्वां/ मोलावणी साधनांची निर्मिती करप.

## 5.2 लागू करप

अ) एनपीएसटीची अंमलबजावणी योग्य राज्य / केंद्र शासित प्रदेश सरकारान नियुक्त केल्ले योग्य संस्थे वरवीं करतले आनी तेच प्रमाणे केंद्र सरकारा खाला आशिल्ल्यो संस्थो/ संघटणांनीय आसतलें.

ब) योग्य नामनिर्देशीत संस्था (केंद्र / राज्य) एक तपशीलवार कार्यपद्धती तयार करतली आनी शिक्षक वेवसायीक विकास आनी कारकीर्द वेवस्थापना खातीर एनपीएसटी मार्गदर्शक दस्तावेजा सयत अंमलबजावणी आनी एकत्रीकरणा खातीर सुचोवण्यो दितली.

क) एनपीएसटीचेर एनसीटीइ सयत संपर्क सादपाच्या उद्देशान योग्य सरकार एक नोडल अधिकारी नियुक्त करतलें.

ड) एनसीटीइ नोडल अधिकाऱ्यांच्यो बसका/ कार्यशाळा आयोजीत करतली.

ई) एनपीएसटीचे अंमलबजावणी खातीर जबाबदार आशिल्ली दरेकी नामनिर्देशीत संस्था एनसीटीई कडेन तपशील वांटणी करतली.

च) एनसीटीइ डेटाबेस सांबाळटली आनी साधनां सयत तज्ञ आनी संसाधनांचें भांडार आसतलें आनी तें योग्य सरकार / संस्थे कडेन वांटणी करतलें.

छ) एनपीएसटी ही एनइपी 2020 च्या परिच्छेद 5.20 त परिकल्पना केल्या प्रमाणें देशभरांतल्या शिक्षक वेवसायीक विकास आनी कारकीर्द वेवस्थापना कडेन एकत्रीत करतले.

## 5.3 वेळोवार नियाळणी

मानकांचो परिणामकारकतेचो खर अणभव आशिल्ल्या विश्लेशणाच्या आदारान वेवसायीक मानकांचे वेळोवार नियाळणी आनी सुदारण करतले.

# 6 एनपीएसटी चौकटीचेर आदारीत निर्धारणाचीं साधनां (सुचोवणी)

**मानदान्दा 1: गुदि/गुबै गुन आरो बोसोनखान्थि**

| | |
|---|---|
| **क्षेत्र 1: भारताच्या संविधानांत आसपाव केल्लीं घटनात्मक मुल्यां** | |
| **एसडी 1.1- संविधानीक मुल्यांच्या संदर्भांत तर्क करपाची तांक, प्राधान्यां, विचार आनी स्पश्ट करपाची तांक** | |
| 1.1.1 | सगळ्या विद्यार्थ्यांक आनी सहकाऱ्यांक आदर आनी समान वागणूक. |
| 1.1.2 | लोकांक आपले विचार आनी भावना व्यक्त करूंक मेकळीक मेळपा सारकें सुरक्षीत वातावरण तयार करून सगळ्यां मदीं एकचार आनी समरसतायेक चालना दिता. |
| **दा: फो: 1.2 - माहिती नैतीक तशेंच जबाबदारीन वापरप आनी विद्यार्थ्यांचो मान सुनिश्चीत करता** | |
| 1.2.1 | विद्यार्थ्यांची माहिती राखता आनी अधिकाऱ्यांक विशिश्ट उद्देशां खातीर गरज आसले बगर ती वांटून घेनात. |
| **एसडी 1.3 - भारतीय संविधानाच्या कलम 51 अ हातूंत दिल्ल्या मुळाव्या कर्तव्या विशीं जागृताय आनी आचरण** | |
| 1.3.1 | सगळ्या विद्यार्थ्यां मदीं आमच्या देशाचेर मोग आनी आमच्या गिरेस्त आनी वेग-वेगळ्या दायजाचो अभिमान सक्रियपणान रुजयता. |
| 1.3.2 | विद्यार्थ्यांक पर्यावरण सांबाळूंक, विज्ञाननिश्ठ आवड निर्माण करूंक आनी राष्ट्रीय उदरगतींत योगदान दिवंक प्रोत्साहन दिता |
| **एसडी 1.4 - परस्पर विरोधी परिस्थितींत कायदेशीर बंधनां, नेम, अटी, धोरणां आनी नैतीक कारण समजून घेवपाची तांक आनी गुंतागुंतीच्या वातावरणांत वाटाघाटी करपाची तांक** | |
| 1.4.1 | सांगिल्ले नेम (शाळा तशेंच राज्याचे नेम) सक्रियपणान पाळटा आनी तांकां दुर्लक्ष केल्यार वा मोडल्यार ताचे परिणाम कितले जातात हाची जाणविकाय आसता. |
| 1.4.2 | विद्यार्थ्यांक आनी सहकाऱ्यांक नेम पाळूंक प्रोत्साहन आनी आदार दिता आनी समस्या निर्माण जातकूच तांकां सोडोवंक मजत करता. |
| **क्षेत्र 2. वेवसायीक संबंद** | |
| **एसडी 2.1- शिकपी विद्यार्थ्यां खातीर सह-अभ्यासक्रम संद सुरू करपा खातीर हेर वेवसायीक आनी संघटणां कडेन संवाद सादप** | |
| 2.1.1 | विद्यार्थ्यां खातीर वेग-वेगळ्यो शिकपाच्यो संदी तयार करपा खातीर शाळेंतल्या सहकाऱ्यां वांगडा आनी हेर वेवसायिकां वांगडा सहयोग. |
| 2.1.2 | विद्यार्थ्यां खातीर वास्तवीक ध्येय थारायता आनी सगळ्यांक सुरक्षीत आनी मोलादीक अशें जाणवपी आदार दिवपी शिकपाची संस्कृताय तयार करून तांकां तीं साध्य करूंक मजत करता. |
| **एसडी 2.2 - भुरग्याच्या समग्र विकासांत पालक आनी समाजाची भुमिका मान्य करप आनी समजून घेवप** | |
| 2.2.1 | विद्यार्थ्यांक घरांत आनी समाजांत शिकपाचो आदार मेळचो हे खातीर पालक आनी समाजा कडेन विस्वासपात्र संबंद तयार करता. |
| **एसडी 2.3- साधनसुविधा वांटपा खातीर स्वताची शाळा आनी हेर संस्था आनी समाज हांचे मदीं परस्पर संबंद दवरपाची तांक आदी.** | |

| | |
|---|---|
| 2.3.1 | विद्यार्थ्यांच्या शिकपाच्या अणभवांक समृध्द करपा खातीर हेर शाळांनी शिक्षकां कडेन आनी समाजा कडेन घट संबंद तयार करता. |
| **एसडी 2.4- शाळे भितर आनी भायर वेग-वेगळया भागधारकां कडेन संबंद पाळप आनी गुंतागुंतीच्या आनी आव्हानात्मक वातावरणांत वाटाघाटी करपाची तांक** | |
| 2.4.1 | धीर आनी विस्वास दवरून संबंद सांबाळटा आनी दर एकलो घटनात्मक मुल्यां आनी वृत्ती पाळटात हाची खात्री करता. |
| **एसडी 2.5 - सगळया विद्यार्थ्यां खातीर समावेशकपणान शिक्षणीक ध्येय साध्य करपा खातीर संस्था प्रभावीपणान आनी कार्यक्षमतेन काम करूंक सक्षम करपा खातीर ध्येय आनी रणनिती थारावपाची तांक आनी शाळेच्या सगळया वांगड्यांक फावो तें कामाचें वातावरण आनी बरेंपण सुनिश्चीत करप** | |
| 2.5.1 | विद्यार्थ्यां खातीर वास्तवीक ध्येय थारायता आनी दरेकल्याक सुरक्षीत आनी मोलादीक अशी जाणवपी आदार दिवपी शिकपाची संस्कृताय तयार करून तांकां तीं साध्य करूंक मजत करता. |
| 2.5.2 | स्वता खातीर आनी सहकाऱ्यां खातीर उत्पादक काम संस्कृतीक योगदान दिता |

**मानक 2: गिन्यान आनी अभ्यास**

| क्षेत्र 3: दर एका भुरग्याच्यो खाशेल्यो क्षमता वळखप, जाणून घेवप आनी पोसवण दिवप | | |
|---|---|---|
| **कुशळ शिक्षक** | **प्रगत शिक्षक** | **तज्ञ शिक्षक** |
| **एसडी 3.1-भुरग्याचो विकास आनी शिकप** | | |
| **विकासाच्या वेग-वेगळया पांवड्यांक आनी क्षेत्रांक संबंदीत सिध्दांतांची समज (संज्ञानात्मक, भाशीक, समाजीक, भावनीक आनी शारिरीक)** | **व्यक्तीं खातीर शिकपाचे आनी विकासाचे नमुने वळखुपा खातीर भुरग्यांच्या विकासा विशीं गिन्यानाचो आनी समजुतीचो वापर** | **समवयस्कांक भुरग्यांच्या विकास सिध्दांतांचो आदर्श उपेग** |
| 3.1.1. शिकपाची तांक आनी साध्यताय हें मतींत दवरून वर्गांतल्या वेग-वेगळया गरजांक फुडो करता. | 3.1.2. विद्यार्थ्यांच्या वेग-वेगळया शिकपाच्या गरजेची समजूत वापरता आनी पाठ नियोजन आनी वेव्हारांत हें गिन्यान योग्य रितीन आसपावीत करता | 3.1.3. समवयस्कांक विद्यार्थ्यांच्यो वेग-वेगळ्यो शिकपाच्यो गरजो समजून घेवंक आनी पाठ नियोजनांत तशेंच वेव्हारांत हें गिन्यान योग्य रितीन आसपावीत करूंक मजत करता. |
| **एसडी 3.2-शिकप्याची विविधताय** | | |
| **शिकप्यांचे विविधतायेंतल्या वेग-वेगळया प्रकारांची स्पश्ट समज तयार करप (शिकपाची शैली, शिकपाच्यो गरजो, समाजीक-अर्थीक स्थिती, संस्कृताय, भास, कुटुंब रचणूक आनी हेरां सयत) आनी शाळा आनी वर्गांतल्या हे विविधतायेचेर उपाय काडप** | **विद्यार्थ्यांच्यो वेग-वेगळयो गरजो भागोवपा खातीर शिकपाच्या साधनसुविधांचो गिन्यानाचो वापर आनी समावेशक वर्ग तयार करप** | **वर्गांतल्या अणभवाचेर आदारीत वैयक्तीक विद्यार्थ्यांच्या वेग-वेगळया गरजांचें निदान करपाची आनी तांकां फुडो करपाची तांक.** |

| | | |
|---|---|---|
| 3.2.1. सगळ्या विद्यार्थ्यांक समान वागणूक आनी तांची समाजीक, संस्कृतीक, लिंग वा धर्मीक फाटभूंय पळय नासतना शाळेंतल्या आनी वर्गांतल्या कार्यावळींनी वांटो घेवंक प्रोत्साहन दिता. | 3.2.2. वेग-वेगळीं साधनां दिता आनी विद्यार्थ्यांक वैयक्तीक कथन व्यक्त करूंक आनी तांच्या संदर्भा कडेन संबंदीत मतां उक्तावूंक प्रोत्साहन दिता. | 3.2.3. वैयक्तीक शिकप्यांचे गरजेचें निदान करता आनी ते प्रमाणें शिकोवपाची शिकपाची रणनिती अनुकूल करता. |
| **एसडी 3.3 -अपंगत्व आशिल्ल्या विद्यार्थ्यांच्यो आनी मेधावी (मंद बुद्धी) विद्यार्थ्यांच्यो शिकपाच्यो गरजो** | | |
| **वेग-वेगळ्या प्रकाराच्या अपंगत्वांचें गिन्यान आनी तांच्या खाशेल्या शिकपाच्या गरजेचें तशेंच मेधावी (मंद बुद्धी) भुरग्यांच्या गरजांचें गिन्यानाचें प्रदर्शन आनी तांकां शिकपाक आदार दिवपाची रणनिती तयार करप** | **वर्गांतल्या वेग-वेगळ्या विद्यार्थ्यांच्यो गरजो वळखूंक आनी तांकां फुडो करूंक खाशेल्या गरजेच्या गिन्यानाचो वापर** | **तज्ञ हस्तक्षेपाची गरज आशिल्ल्यो खाशेल्यो गरजो वळखुपाची तांक आनी अशे परिस्थितीं कडेन कशे वचप हाचे विशीं समवयस्कांक इनपूट दिवप** |
| 3.3.1. अपंगत्व आशिल्ल्या विद्यार्थ्यां खातीर आनी मेधावी (मंद बुद्धी) विद्यार्थ्यां खातीर सुलभ आनी संवेदनशीलपणान वेवस्था केल्ल्या पद्धतीन वर्गांतलें वातावरण आनी साधनां संघटीत करता.<br><br>3.3.2. वाचन वा गणीत अशा वर्गांतल्या कामां कडेन अडचणी आशिल्ल्या विद्यार्थ्यां कडेन धीर धरता आनी विचारशील आसता. | 3.3.3. वैयक्तीक विद्यार्थ्यांच्या गरजेचेर आदारीत वेग-वेगळीं योग्य आव्हानात्मक साधनां आनी शिकोवपाची रणनिती वापरता.<br><br>3.3.4. विद्यार्थ्यांच्या तांच्या शिकपाचेर बांदपा खातीर मजत करूंक तांच्या बळग्याचेर आदारीत विद्यार्थी गटांची रचणूक करता. | 3.3.5. खाशेल्या गरजेच्या भुरग्यां खातीर वैयक्तीक शिक्षण येवजण्यो (आयईपी) तयार करता<br><br>3.3.6. अपंगत्व आशिल्ल्या आनी मेधावी (मंद बुद्धी) आशिल्ल्या शिकपी विद्यार्थ्यांच्या गरजे प्रमाणें वर्ग चड समावेशक करपा खातीर आपणावंक शकतले अशें शिक्षणीक रणनितीचेर समवयस्कांक मार्गदर्शन करता. |

| क्षेत्र 4: विशयाचें गिन्यान, संकल्पनात्मक समज आनी वापर | | |
|---|---|---|
| **कुशळ शिक्षक** | **प्रगत शिक्षक** | **तज्ञ शिक्षक** |
| **एसडी 4.1 - विशयाचें गिन्यान, संकल्पनात्मक समज आनी वापर** | | |
| **विशय क्षेत्राचें गिन्यान, समज आनी वापर करूंक क्षमता दाखोवप** | **विशयांतलें आनी आंतर विशय सामुग्री लिंक्स लागू करता आनी थळावें आनी देशी गिन्यान एकठांय करता** | **विशय क्षेत्रांतल्या घडामोडी विशीं खबर दवरता आनी अभ्यासक्रमाच्या वेव्हारांत नवी संकल्पना हाडटा** |
| 4.1.1. संकल्पना शिकवपा खातीर कार्यावळी, कथा, प्रयोग आनी हेर वेग-वेगळी रणनिती वापरता<br>4.1.2. वर्गांत विद्यार्थ्यांनी विचारिल्ल्या प्रस्नांक गरज पडल्यार अचूक आनी तपशीलवार संबोधीत करता | 4.1.3. सद्याच्या आनी आदल्या पाठांच्यो संकल्पना जोडटा.<br>4.1.4. लागू जाता थंय हेर शाळेच्या विशयांक आनी थळाव्या/ देशी गिन्याना कडेन संबंद जोडटा | 4.1.5 विशयाच्या अभ्यासक्रमांतल्या अपेक्षांक पाळो दिवपा खातीर नव्या शिक्षणीक तंत्रांत नवेंपण हाडटा.<br>4.1.6. नेमान स्वताच्या विशयाक वा हेर विशयांक संबंदीत संशोधन लेख, नेमाळीं, वा नियतकालिकांचो संदर्भ दिता. |

| क्षेत्र 5: अभ्यासक्रम | | |
|---|---|---|
| **कुशळ शिक्षक** | **प्रगत शिक्षक** | **तज्ञ शिक्षक** |
| **क्षेत्र 5: अभ्यासक्रमाची रचणूक** | | |
| **विशय/शाखेंतल्यान अभ्यासक्रमाच्या आनी अभ्यासक्रमाचे रचणुकेचीं ध्येयां विशीं स्पश्ट समज तयार करप** | **विशयांतल्यान अभ्यासक्रमाचे लिंक्स समजून घेवंक आनी विकसीत करूंक सहकाऱ्यां वांगडा सहयोग** | **हालींचे घडामोडी आनी नव्या गिन्यानाचो विचार करून, अभ्यासक्रमाच्या वेव्हारांत सुदारणां आनी विकास** |
| 5.1.1. अभ्यासक्रमाची अपेक्षा आनी विशय शिकोवपाचें ध्येय मतींत दवरून पाठाचो वेव्हार करता. | 5.1.2 विद्यार्थ्यांक समग्र शिकप शक्य करपा खातीर विशयाचो अभ्यासक्रम आनी हेर विशयां मदीं स्पश्ट संबंद करून पाठाचो वेव्हार करता. | 5.1.3. नियोजन आनी वेव्हारा कडेन संबंदीत आतांची कल्पना आसपावीत करता.<br>5.1.4 कार्यशाळा, वाचन वा हेर खंयच्याय स्त्रोता वयल्यान शिकप नियोजन आनी वेव्हाराक लागू करप |

| क्षेत्र 6: विद्यार्थ्यांच्या शिक्षणा खातीर सामुग्रीचो विकास. | | |
|---|---|---|
| **कुशळ शिक्षक** | **प्रगत शिक्षक** | **तज्ञ शिक्षक** |
| एसडी 6.1 - अनुदेशात्मक/ शिक्षणीक कार्यनीती आनी शिक्षण वर्गीकरणां | | |
| **सामान्य शिक्षण कार्यनीती, अध्यापनांत वापरिल्लीं शिक्षण वर्गीकरणां आनी सामान्य शिक्षणीक पद्धती आनी संसाधनां समजून घेवप.** | **स्वताच्या विशयांत/ अध्यापन क्षेत्रांत शिक्षण वर्गीकरणां आनी शिक्षणीक कार्यनीती वापरून विकासात्मक नदरेन योग्य शिक्षण लक्ष्य/ परिणाम तयार करप.** | **शिक्षण सिध्दांत, अनुदेशात्मक/ शिक्षणीक कार्यनीती वेंचूंक, आनी आकर्शक पाठाची येवजण तयार करूंक अध्ययन वर्गीकरणांचो वापर करूंक सहकाऱ्यांचें मार्गदर्शन करप.** |
| 6.1.1 विद्यार्थ्यांक सामुग्री समजून घेवंक मदत जावची म्हणून तांच्या मदीं मुक्त संवादाची सोय करून दिता. | 6.1.2. विद्यार्थ्यांक वेगवेगळ्या विशयांचेर प्रस्न, चर्चा आनी तांच्या दिश्टिकोणाचेर भासाभास करूंक प्रोत्साहीत करता. | 6.1.3. वांगड्यां मदीं शिकप सोंपें जावचें म्हणून जायत्या संरचीत आनी असंरचीत परस्पर संवादांच्या वापरांत समतोल सुनिश्चीत करूंक वांगड्यांक मार्गदर्शन करप. |
| एसडी 6.2 विभेदीत शिक्षण/ अध्यापन | | |
| **विभेदीत शिक्षण/ अध्यापन कार्यनीतींचें स्पश्ट आकलन आनी समज आनी विद्यार्थ्यांचो शिक्षणांत सहभाग वाडोवपा खातीर तांची भुमिका दाखयात.** | **विद्यार्थ्यांक शिक्षणांत गुंतवपा खातीर विभेदीत शिक्षण लागू करप.** | **विद्यार्थ्यांचो सहभाग वाडोवपा खातीर विकासात्मक नदरेन योग्य अशीं विभेदीत कार्यां आनी कार्यनीती तयार करूंक सहकाऱ्यांचें मार्गदर्शन करप.** |
| 6.2.1. पाठ्यक्रमाचीं उद्दिश्टां संबोधीत करूंक अध्यापन-अध्ययन पद्धती आनी कार्यनीती हांचो संयोग वापरता. | 6.2.3. ज्या विद्यार्थ्यांची शिक्षणाची गरज वेगळी आसा अशा वर्गांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर प्रस्न/ कार्यां वेगळीं थारावचीं जाका लागून तांकां योग्य आव्हान मेळटलें. | 6.2.5. विद्यार्थ्यांक स्वताचो दृश्टीकोण उक्तावूंक, फावो ती सुवात आशिल्ली विभेदीत शिक्षण कार्यनीती नेमान वापरता. |
| 6.2.1. सगळ्या विद्यार्थांक विचारशील आनी विचारपूर्ण प्रतिसाद दिता. | 6.2.2. ज्या विद्यार्थ्यांची शिक्षणाची गरज वेगळी आसा अशा वर्गांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर प्रस्न/ कार्यां वेगळीं थारावचीं जाका लागून तांकां योग्य आव्हान मेळटलें. | 6.2.3. विद्यार्थ्यांक स्वताचो दृश्टीकोण उक्तावूंक फावो ती सुवात आशिल्ली विभेदीत शिक्षण कार्यनीती नेमान वापरता. |

| | | |
|---|---|---|
| **एसडी 6.3- चिकित्सात्मक, सर्जनशील आनी उच्च दर्ज्याचो विचार ह्या सारकीं जिणेची कौशल्यां विकसीत करपा खातीर कार्यनीती आनी साधनां.** | | |
| **चिकित्सात्मक, सर्जनशील विचार आनी/ वा हेर उच्च दर्ज्याचीं विचार कौशल्यां विकसीत करपी सामान्य शिक्षणीक कार्यनीतीची खोलायेन समजूत दाखोवची.** | **अशीं कौशल्यां विकसीत करपा खातीर योग्य शिक्षणीक कार्यनीती वापरप.** | **ह्या मळार हालींच्या विकासाच्या गिन्यानाचेर आदारीत नव्यो शिक्षणीक कार्यनीती तयार करप.** |
| 6.3.1 भुरग्यांक जिणेच्या दीसपट्ट्या समस्यांक संकल्पना लागू करूंक मदत करपी वर्गांतलीं कार्यां वापरतात.<br>6.3.2 समाजीक-भावनात्मक गरजे प्रमाणें वर्गांतल्या कांय कार्यांचो (देखीक, ध्यान, सर्कल टायम आ हेर) आसपाव केला. | 6.3.3 वर्गांतल्या शिक्षणाचो एक भाग म्हणून भुरग्यांक विश्लेशण आनी चवकशी खातीर नेमान संदी दिता.<br>6.3.4 दिसपट्ट्या वर्गांतल्या उपक्रमांत समाजीक परस्परक्रिया, संप्रेशण आनी सहकार्य अशा समाजीक-भावनीक कौशल्यांचो विकास सक्रियपणान संकलीत करता. | 6.3.5 विशिश्ट विशयां खातीर वा सगळ्या विशयां खातीर टिकात्मक विचार, अन्वेशण, प्रस्न विचारप, चिंतन आनी हेर सोयीचे करूंक शिक्षणीक दृश्टीकोण तयार करता.<br>6.3.6 दरेका विद्यार्थ्याच्यो समाजीक-भावनात्मक गरजो नेमान तपासता आनी तांकां संबोधीत करता. |
| **क्षेत्र 7: शिक्षणाच्यो येवजण्यो** | | |
| **कुशळ शिक्षक** | **प्रगत शिक्षक** | **तज्ञ शिक्षक** |
| **एसडी 7.1-शिक्षणाचीं लक्ष्यां आनी उद्दिश्टां** | | |
| **मेजपा सारकीं आनी साध्य करूंक येवपी शिक्षणाचें लक्ष्य आनी उद्दिश्टां समजून घेवप.** | **पाठ्यक्रमाचे संरचने कडेन जुळपी विशयाक मेजपा सारकीं आनी साध्य करूंक येवपी शिक्षणाचीं लक्ष्यां आनी उद्दिश्टां तयार करप.** | **विद्यार्थ्यांच्यो वेग-वेगळयो गरजो पुराय करून तांच्या एकंदर विकासाचो विचार करप आनी व्हड अपेक्षा दवरून आव्हानात्मक पूण साध्य करपा सारकीं लक्ष्यां विकसीत करपाची तांक.** |
| 7.1.1 व्यापक उद्दिश्टां मतींत दवरून कार्यां आनी मुल्यांकनां शिक्षणाच्या परिणामां कडेन योग्य रितीन जोडून पाठाच्यो येवजण्यो तयार करप. | 7.1.2 विशयाचीं लक्ष्यां आनी उद्दिश्टां साध्य करपा खातीर शिक्षणाचे परिणाम तयार करता. | 7.1.3 गरज आसता तेन्ना विशिश्ट शिक्षण परिणामांक संबोधीत करतना थळावे संदर्भ आनी विद्यार्थ्यांच्यो गरजो पुराय करपा खातीर पाठ आनी येवजण्यो संदर्भीत करता. |

| एसडी 7.2 शिक्षणाच्या अणभवांचें नियोजन | | |
|---|---|---|
| **एका विशिश्ट शिक्षणाच्या उद्देशा खातीर शिक्षणाची येवजण तयार करपाची तांक.** | **दरेकी विद्यार्थ्याच्या गरजांचो आसपाव करून वेगवेगळयो शिक्षणाच्यो येवजण्यो तयार करप.** | **पाठ्यक्रमाचेर आदारीत परस्परसंबंदीत शिक्षण येजण्यांची वळेरी तयार करपाची तांक.** |
| 7.2.3 आशय, परिणाम, कार्यां आनी मुल्यांकन कार्यनीती सयत भोवव्यापक पाठाच्यो येवजण्यो तयार करता. | 7.2.4 ज्या विध्यार्थ्यांक अतिरिक्त आदाराची गरज आसा तांच्या खातीर विशिश्ट कार्यां आनी संसाधनांची येवजण करता. (देखीक, वाचपाक कठीण जावपी वाचकां खातीर सोंपो मजकूर). | 7.2.5 भुरगीं विशय शिकतात ते पद्धतीचेर तशेंच आदल्या वर्गांतल्या शिकपाचेर आदारीत संकल्पना आनी पाठांची क्रमवार वेवस्था करपी पाठ येवजण्यो तयार करात. |
| **क्षेत्र 8: अध्ययनाचें, अध्ययना खातीर आनी अध्ययन म्हणून निर्धारण** | | |
| **कुशळ शिक्षक** | **प्रगत शिक्षक** | **तज्ञ शिक्षक** |
| **एसडी 8.1 निर्धारणाची कार्यनीती** | | |
| **वेग-वेगळया प्रकारांच्यो निर्धारणाची कार्यनीती आनी साधनां समजून घेवप.** | **विद्यार्थ्यांच्या शिकपाच्या गरजा प्रमाणें योग्य त्यो निर्धारणाची कार्यनीती वेंचच्यो.** | **संघटणात्मक, राज्य आनी राष्ट्रीय स्तराचेर निर्धारण धोरणांचें गिन्यान प्रदर्शीत करचें.** |
| 8.1.1 विद्यार्थ्यांचें निर्धारण करूंक वर्गांतलें निरिक्षण, प्रस्न विचारप, आनी नोटबुकांत बरयल्लें काम (पाठाचे अखेरेक विचारिल्ले प्रस्न) अश्यो कार्यनीती वापरतात.<br><br>8.1.2 अध्यापन - अध्ययनाचे प्रक्रिये वेळार विद्यार्थ्यांक मुक्त प्रस्न विचारता. | 8.1.3 विद्यार्थ्यांच्या शिकपाच्या गरजा प्रमाणें प्रकल्प, सादरीकरणां, पोर्टफोलियो, प्रयोग, प्रस्नमाची, सर्वेक्षण, केस स्टडी अशा अनेक पद्तींचो नेमान वापर करता.<br><br>8.1.4 दिल्ल्या विशयाचेर विद्यार्थ्यांक किदें खबर आसा आनी किदें समजता तें थारावपा खातीर तांचे कडेन संवाद सुरू करता. | 8.1.5 प्रस्तूत धोरण दस्तावेजांत सुचयिल्ल्या प्रमाणें वर्गांतल्या निर्धारणाच्यो उत्कृश्ट पद्धती चालीक लायता<br><br>8.1.6 वर्गांत आनी शिकपाचें साधन म्हणून निर्धारणाचो सक्रियपणान आसपाव करता. |

| एसडी 8.2 निर्धारण डेटा | | |
|---|---|---|
| **निर्धारण डेटा वरवीं विद्यार्थ्यांचो परिचय करून घेयात.** | **मोख थारावूंक आनी अध्ययन येवजण्यो तयार करूंक निर्धारण डेटाचो वापर करचो.** | **विद्यार्थीचे/ वर्गांतले कामगिरीची एकत्रीत नदर तयार करूंक जायत्या स्रोतां कडल्यान डेटाचो फायदो घेवप, आनी योग्य सुदारणां वरवीं शिकपाक चालना दिवप.** |
| 8.2.1 वर्गांतल्या शिक्षणांत सामान्य प्रस्न आनी पर्यायी कल्पना वळखुपाक आनी ताचेर उपाय काडूंक निर्धारण डेटा वापरता. | 8.2.2 विद्यार्थ्यांच्या विशिश्ट शिकपाच्या गरजा प्रमाणें पाठाच्यो येवजण्यो आनी शिक्षणशास्त्रांत फावो तितलो बदल करूंक निर्धारण डेटाचो वापर करता. | 8.2.3 शिक्षण आनी नियोजनांत सुदारणां करूंक वाव आशिल्ले जागे वळखुपा खातीर जायतीं निर्धारण वापरून एकठांय केल्ले विद्यार्थी शिक्षणाचे माहितीचें एकीकरण करता.<br>8.2.4 शिक्षण आनी नियोजनांत सुदारणा करपाचे जागे वळखून विशिश्ट हस्तक्षेपाची येवजण करता. |
| **एसडी 8.3 - संप्रेशण आनी अभिप्राय** | | |
| **विद्यार्थी, पालक आनी सांबाळप्यांक विद्यार्थ्यांचे कामगिरीची माहिती दिवची.** | **विद्यार्थ्यांचे कामगिरीचेर दिल्लो विशिश्ट अभिप्राय तांच्या पालकांक आनी सांबाळप्यांक सांगचो.** | **विद्यार्थी शिक्षणाचें मार्गदर्शन करूंक पालक आनी समुदायेच्या वांगड्या सयत सहयोग करचो.** |
| 8.3.1 विद्यार्थ्यांचो अभ्यास तपासतना वा तांचे जापेक प्रतिसाद दितना विशिश्ट गुणात्मक अभिप्राय दिता.<br>8.3.2 शाळेन आयोजीत केल्ल्या पीटीए बसकांनी भुरग्यांचे कामगिरीचेर, मुखेलपणान तांचे गूण आनी तांच्या वर्गांतल्या सहभागाच्या नदरेन पालक आनी सांबाळप्यां कडेन चर्चा करता. | 8.3.3 दरेका विद्यार्थ्याक नेमान सुदारणां करपा खातीर विशिश्ट सुचोवण्यां सयत तांचे कामगिरीचेर सविस्तर अभिप्राय दिता.<br>8.3.4 विद्यार्थ्यांचे कामगिरीचेर दिल्लो विशिश्ट आनी सविस्तर अभिप्राय पालकांक/ सांबाळप्यांक सांगता. | 8.3.5 विद्यार्थ्यांक स्वताच्या आनी वांगड्यांच्या मुल्यांकनांतल्यान तांचे कामगिरीचेर विचार करूंक सक्रियपणान प्रोत्साहन दिता<br>8.3.6 घरांत भुरग्यांच्या शिक्षणाक कसो आदार दिवचो हाचे विशीं पालक/ सांबाळप्यांचें विशिश्ट आनी सुविचारीत मार्गदर्शन करता. |

| क्षेत्र 9: शिक्षणांत तंत्रगिन्यानाचो वापर आनी आसपाव | | |
|---|---|---|
| **कुशळ शिक्षक** | **प्रगत शिक्षक** | **तज्ञ शिक्षक** |
| **शिक्षणांत तंत्रगिन्यानाची भुमिका समजून घेता.** | **अध्यापन - अध्ययन, निर्धारण आनी वर्ग वेवस्थापनाक आदार दिवंक आयसीटी (ICT) साधनांचो वापर करता.** | **स्वताक आनी सहकाऱ्यां खातीर अध्यापन -अध्ययनाक आदार दिवंक योग्य तंत्रीक साधनां तयार करचीं.** |
| 9.1 विशिश्ट संकल्पना शिकोवपाची परिणामकारकता सुदारूं येता अशीं योग्य आयसीटी (ICT) साधनां वळखता. | 9.2 अध्यापन तशेंच मुल्यांकन पद्दतींत सर्जनशीलपणान बदल करूंक सद्याच्या आयसीटी (ICT) संसाधनांक प्रभावीपणान अनुकूल करता. | 9.3 स्वताच्या तशेंच वांगड्यांच्या अध्यापन-अध्ययनाच्या कार्यांक आदार दिवंक स्वताचीं आयसीटी (ICT) साधनां तयार करचीं. |
| **क्षेत्र 10: वर्गांतले घटक आनी गतीशास्त्र.** | | |
| **कुशळ शिक्षक** | **प्रगत शिक्षक** | **तज्ञ शिक्षक** |
| **एसडी 10.1 सुरक्षीत, पोशक आनी आदार दिवपी शिक्षण वातावरण.** | | |
| **सुरक्षीत आनी सर्वसमावेशक वर्ग तयार करूंक सुविधा आनी संसाधनां आयोजीत करचीं** | **सर्वसमावेशक आनी आदार दिवपी शिक्षणाचें वातावरण स्थापन करचें जातूंत विद्यार्थी भिरांत नासतना आपले विचार मांडटले.** | **सुरक्षीत आनी सर्वसमावेशक वर्ग तयार करूंक विद्यार्थ्यांचो आसपाव करचो** |
| 10.1.1 वर्गांतल्या कामां खातीर नित्यनेम आनी कार्यपद्धती थारावप. | 10.1.3 विद्यार्थ्यांच्यो सुचोवण्यो लक्षांत घेवन लवचीक वर्ग नित्यनेम थारायता | 10.1.5 विद्यार्थ्यांनी मालकी घेवन वर्गांतले नित्यनेम सह-निर्मीत करप. |
| 10.1.2 विद्यार्थ्यां मदीं हालचाल, संवाद आनी संप्रेशणाक उर्बा दिवपी ताणमुक्त वर्गाच्या वातावरणाची खात्री करता | 10.1.4 विद्यार्थ्यांक उक्तेपणान तांचे विचार मांडूंक आनी संबंदीत दीसपट्ट्या प्रस्नांचेर (देखीक, अस्वस्थताय, गुंडगिरीचे प्रस्न, विस्वास निर्माण करप आनी हेर) चर्चा करूंक प्रोत्साहीत करता. | 10.1.6 सुरक्षीत, सर्वसमावेशक आनी अनुकूल वर्गाच्या भावनेचें प्रतिबिंब आशिल्ल्या वर्गा खातीर सह-निर्मीत करपी नेम. |
| **एसडी 10.2- वर्ग वेवस्थापन** | | |
| **वर्ग वेवस्थापन पद्दतींचें गिन्यान आनी तांचो वापर करपाची तांक दाखोवप** | **विद्यार्थ्यांचे वागणुकेंत विविधताय समजून घेवन तांकां आसपावून घेवप.** | **विद्यार्थ्यां मदीं स्वताची शिस्त, वैयक्तीक जापसालदारकी आनी फुडारपण विकसीत करता (आदर्श)** |
| 10.2.1 वर्गांत स्वताचे नेम आनी मानदंड थारायतात आनी संबंदीत वेळार विद्यार्थ्यांची वागणूक तपासतात आनी बदल घडयता. | 10.2.2 विद्यार्थ्यांचे वागणुकेक तांच्या संदर्भा कडेन जोडटा आनी योग्य प्रतिसाद दिता. | 10.2.3 लोकशाय पद्धतीन विद्यार्थ्यां वांगडा अपेक्षांचो सह-विकास करतात आनी तांकां ह्या अपेक्षांचो स्वता तर्क लावंक प्रोत्साहीत करता. |

| एसडी 10.3 - प्रभावी वर्ग संप्रेशण | | |
|---|---|---|
| **जायते शाब्दीक आनी अशाब्दीक वर्ग संप्रेशण कार्यनीती समजून घेवपाची तांक मेळोवप.** | **शिक्षण सहभागी करूंक वेग-वेगळ्या शाब्दीक आनी अशाब्दीक वर्ग संप्रेशण कार्यनीतींचो वापर करप आनी प्रतिसाद दिवप.** | **वर्गांत संप्रेशण सुदारपाक सहकाऱ्यांक आदार/ मार्गदर्शन करूंक रचनात्मक अभिप्राय दिवचो** |
| 10.3.1 दोळयांचो संपर्क, हावभाव, संकेत दिवप आनी हेर सारकिल्या योग्य शाब्दीक आनी अशाब्दीक संप्रेशण कार्यनीती दाखोवप. | 10.3.2 विद्यार्थ्यांच्या सहभागाक उर्बा दिवपा खातीर वेग-वेगळयो योग्य शाब्दीक आनी अशाब्दीक संप्रेशण कार्यनीती वापरतात. 10.3.3 दरेका विद्यार्थ्याच्या अशाब्दीक संप्रेशणाचो अर्थ लायता आनी शिकयतना स्वताच्या संप्रेशण कार्यनीतींत योग्य सामंजस्य करता. | 10.3.4 प्रभावी वर्ग संप्रेशण कार्यनीती चालीक लावंक बरोबरच्यांचें मार्गदर्शन करता. |
| **एसडी 10.4 -भाशेची विविधताय आनी भोव-भाशीकताय** | | |
| **भाशेची विविधताय आनी प्रसंगोचीत भाशेंत (भाशांनी) प्राविण्य आसले तरी सगळया भुरग्यां विशीं सर्वसमावेशकता दाखोवप.** | **अध्यापन आनी अध्ययन सोयीचें करूंक वर्गांत भोवभाशीकतायेचो वापर करूंक सहकाऱ्यांक आदार दिता.** | **वांगड्यां मदीं अध्यापन आनी अध्ययन सोंपें जावचें म्हणून भोव-भाशीकतायेच्या वापराचें समर्थन करप.** |
| 10.4.1 वर्गांतल्या वेव्हारा वेळार गरज पडल्यार शिकोवपाचें माध्यम आनी थळावी भास हांचे मदीं बदल करता. | 10.4.2 भाशीक नदरेन विविधताय आशिल्ल्या वर्गांत आपणायिल्ले कार्यनीतीचेर बरोबरच्यांचें मार्गदर्शन करता | 10.4.3 सरावांतल्यान, लेख बरोवन, बरोबरच्यां मदीं गट चर्चा आनी हेरां वरवीं वर्गांत बरे तरेन शिकूंक भोव-भाशीक शिक्षणशास्त्राची गरज दाखयता. |

**मानक 3: वेवसायीक वाड आनी उदरगत**

| क्षेत्र 11: अध्ययनाच्यो गरजो | | |
|---|---|---|
| **कुशळ शिक्षक** | **प्रगत शिक्षक** | **तज्ञ शिक्षक** |
| **अध्ययनाच्यो गरजो वळखून स्वताच्या वेवसायीक विकासा खातीर लक्ष्यां थारावप.** | **जाळवणदारां कडल्यान मेळिल्ल्या माहितीच्या आदारान वेवसायीक विकास येवजण तयार करप.** | **सहकाऱ्यां खातीर वेवसायीक विकासाच्यो संदी नियोजन आनी पुरवण करून दिवप** |
| 11.1 विकासाच्या व्यापक वाठारांचेर उपाय काडपाची येवजण सोदून काडटा | 11.3 विकासाच्या क्षत्रांनी लक्ष केंद्रीत करपा खातीर कृती संशोधन वा हेर अग्रसक्रीय उपाय काडप. | 11.5 तांच्यो शिकपाच्यो गरजो वळखून त्यो गरजो भागोवपा खातीर योग्य उपाय येवजण्यो करूंक वांगड्यांचें मार्गदर्शन करता. |

| | | |
|---|---|---|
| 11.2 विशिश्ट शिकपाच्या गरजा खातीर कार्यशाळा, बसका, प्रशिक्षण, परिसंवाद, परिशद आनी हेर घडोवन हाडटा. | 11.4 लेख, पुस्तक प्रकरणां, पुस्तकां, बरोबरच्यान नियाळ केल्ल्या प्रकाशनांत बरयता आनी/ वा योगदान दिता. | 11.6 नेमाळयां खातीर लेख बरोवंक आनी कृती संशोधन करूंक वांगड्यांचें मार्गदर्शन करता. |

**क्षेत्र 12 : चिंतनशील पद्दत**

| कुशळ शिक्षक | प्रगत शिक्षक | तज्ञ शिक्षक |
|---|---|---|
| **चिंतनशील पद्दतींची समजूत दाखोवप** | **स्वताच्या अध्यापन पद्दतींत बदल करपा खातीर चिंतनशील पद्दतींचो वापर करचो.** | **चिंतनशील पद्धती लागू करूंक सहकाऱ्यांक आदार/ मार्गदर्शन करप.** |
| 12.1 स्वताच्या पद्धतीच्या बळिश्ट आनी दुबळया गजालींचेर चर्चा करता.<br>12.2 दरेका विद्यार्थ्याचें बळगें आनी दुबळेपणांचेर चर्चा करता. | 12.3 विद्यार्थ्यांच्या शिकपाच्या गरजा प्रमाणें पाठाच्यो येवजण्यो आनी वर्गांतल्या कार्यनीतींचेर चिंतन दस्तावेजीकरण करप.<br>12.4 वर्गांत बरे तरेन अध्यापन - अध्ययना खातीर पद्दत बदलूंक आपणायिल्ल्यो विविध पद्धती सादर करता. | 12.5 चिंतनात्मक पद्दतींत सहकाऱ्यांचें मार्गदर्शन करप.<br>12.6 चालू आशिल्ल्या शिक्षणा खातीर बरोबरच्याचो आदार गट तयार करूंक फुडाकार घेता. |

**क्षेत्र 13: शिकपी समुदायेंत गुंतवणूक आनी सहभाग**

| कुशळ शिक्षक | प्रगत शिक्षक | तज्ञ शिक्षक |
|---|---|---|
| **शाळेंत आनी शाळे भायर शिकपाचे संदींत वांटो घेवप.** | **परिशद, परिसंवाद वा वॅबिनरांत आपलें संशोधन आनी अध्ययन सादर करतात.** | **शाळेंत अध्ययन समुदाय सुरू करप आनी वेवसायीक विकास सत्रां आयोजीत करप.** |
| 13.1 शाळेंत आनी शाळे भायर वांटून घेतिल्ल्या अध्ययनाचे संदी खातीर वेग-वेगळया मंचांचेर वेग-वेगळया स्रोतांचो/ सहभागाचो वापर करतात.<br>13.2 वेवसायीक शिक्षण आनी चवकशेक चालना दिवपी संबंदीत कार्यावळींक चड करून वांटेकार वा निरिक्षकाच्या हुद्यान हाजीर रावता. | 13.3 राज्य पांवड्या वयल्या परिशदेंत/ परिसंवादांत नेमान स्वताचें अध्ययन, वर्गप्रयोग आनी हेर सादर करता.<br>13.4 राष्ट्रीय परिशदेंत/ परिसंवादांत स्वताचें अध्ययन, वर्गप्रयोग आनी हेर नेमान सादर करता. | 13.5 सहकाऱ्यांच्या शिक्षणाक चालना दिवपा खातीर संयुक्तपणान कार्यशाळा, बसका, प्रशिक्षण, परिसंवाद, परिशद आनी हेर घडोवन हाडटा.<br>13.6 शेजारच्या शाळांतल्या शिक्षकांच्या विस्तारीत शिक्षण समुदायेच्या विकासा खातीर वावुरता. |

# 7 एनपीएसटीचेर एनसीटीक्यू खातीर डिजिटल मुळावी बांदावळ




## एनपीएसटीचेर कामाच्या व्याप्तीचे सुचयल्ले घटक

- **एनपीएसटी पोर्टल निर्मिती**
  शिक्षक रॅपॉझिटरी, अध्ययन (लर्निंग) रॅपॉझिटरी, क्रॅडेन्शियल वेवस्थापन, एनपीएसटी खातीर मूल्यांकन, (स्वयं आनी निरिक्षीत), अंमलबजावणी खातीर एनपीएसटी डिजिटल येवजण, संस्था आनी कार्यक्रम वेवस्थापन, दीक्षा/ निश्ठा वरवीं स्वयं अध्ययन, अध्ययन/ प्रशिक्षण/ सीपीडीची रॅपॉझिटरी, शिक्षकां खातीर ई-पोर्टफोलिओची निर्मिती करप जाका लागून दरेकी क्षेत्रांत आनी मानकांत शिक्षकांच्या आकलनाची व्याप्ती वाडटली, शिक्षकांक तांचे गूण आनी विविध क्षमतां वयली कामगिरी परत मेळोवपाची यंत्रणा, स्वयं-मूल्यांकन साधनां, शिक्षकांचे नोंदीचो डेटाबेस विकसीत करतले.
- **एनपीएसटी अंमलबजावणी आनी देखरेख सॉफ्टवॅर**
  - राज्य आनी राष्ट्रीय पांवड्यार एनपीएसटी चालीक लावपा खातीर अखंडीत निरिक्षण पद्दत
  - शिक्षकांच्या अखंडीत वेवसायीक उदरगती खातीर ट्रॅकर
  - शिक्षक उपदेशकांक मार्गदर्शन करपा खातीर डिजिटल मंच
  - अखंडीत वेवसायीक विकासा खातीर स्वयंचलीत अभ्यासक्रम
  - वॅब आनी ऍप आदारीत अध्ययन उपाय
  - राष्ट्रीय भांडार तयार करप
  - सेवेंत आशिल्ले शिक्षक
  - सेवा पूर्व शिक्षक
  - अध्ययनाच्या पुराव्याचेर नदर दवरप
- **नियंत्रण वेवस्थापन आनी डेटा भागीपण**
- **डिजिटल वेवस्थापन आनी जोडणी**
  - लक्ष्य गटा/ भागधारकां कडेन बेगोबेग संप्रेशण सादपा खातीर डिजिटल परिशद मंच

आकृती 6 एनपीएसटीचेर एनसीटीक्यूच्या डिजिटल विकास येवजणीचेर रेखाटन




आकृती 7 डिजिटल स्कीमा वयलें रेखाटण




आकृती 8 पायलट अभ्यास अंमलबजावणीचेर रेखाटण

# रेखाटणांची वळेरी



| अनुक्र मांक | चित्र | पान |
|---|---|---|
| 1. | शिक्षक तत्परतेचेर रेखाटन, सातवें पान | 7 |
| 2. | वेवसायीक मानकां आनी क्षमतायेचेर रेखाटन, 13 पान | 13 |
| 3. | मुखेल मुल्यां आनी नीतीशास्त्राचेर रेखाटन | 14 |
| 4. | गिन्यान आनी पद्दत हांचेर रेखाटन | 15 |
| 5. | वेवसायीक वाड आनी उदरगतीचेर रेखाटन | 15 |
| 6. | एनपीएसटीचेर एनसीटीक्यूच्या डिजिटल उदरगत आराखड्याचेर रेखाटन | 35 |
| 7. | डिजिटल स्कीमा वयलें रेखाटन | 36 |
| 8. | पायलट अभ्यास अंमलबजावणीचेर रेखाटन | 36 |

# Abbreviations

| | |
|---|---|
| ACR | Annual Confidential Report |
| APR | Annual Performance Appraisal |
| CPD | Continuous Professional Development |
| DIET | District Institute of Education & Training |
| DPEP | District Primary Education Project |
| FLN | Foundational Literacy and Numeracy |
| GoI | Government of India |
| ICT | Information and Communication Technology |
| INSET | Inservice Education and Training |
| JNVS | Jawahar Navodaya Vidyalaya Samiti |
| KVS | Kendriya Vidyalaya Sangathan |
| MoE | Ministry of Education |
| NCTE | National Council for Teacher Education |
| NCERT | National Council of Educational Research & Training |
| NCFTE | National Curriculum Framework for Teacher Education |
| NCTQ | National Centre for Teacher Quality |
| NEP 2020 | National Education Policy 2020 |
| NIEPA | National Institute for Educational Planning and Administration |
| NPST | National Professional Standards for Teachers |
| NMM | National Mission for Mentoring |
| PI | Performance Indicator |
| PSTE | Pre-service Teacher Education |
| RIE | Regional Institute of Education |
| RPL | Recognition of Prior Learning |
| RTE | Right to Education |
| SCERT | State Council of Educational Research & Training |
| SSA | Sarva Shiksha Abhiyan |
| TEI | Teacher Education Institution |
| TEP | Teacher Education Programme |
| TET | Teacher Eligibility Test |

# Bibliography


- Australian Institute for Teaching and School Leadership. (2018). Australian Professional Standards for Teachers.
- https://www.aitsl.edu.au/docs/default-source/national-policy-framework/australian professional-standards-for-teachers.pdf
- Department of Education. (2021). Teachers' Standards: Guidance for School Leaders, School Staff and Governing Bodies. https://assets.publishing.service.gov.uk/government/uploads/system/uploads/attach me nt_data/file/1040274/Teachers__Standards_Dec_2021.pdf
- Education International and UNESCO. (2019). Global Framework of Professional Teaching Standards.
- https://issuu.com/educationinternational/docs/2019_ei-unesco_framework
- Government of India (2020a). National Education Policy 2020. https://www.education.gov.in/sites/upload_files/mhrd/files/NEP_Final_English_0.pdf
- Government of India. (2022b). The constitution of India. https://cdnbbsr.s3waas.gov.in/s380537a945c7aaa788ccfcdf1b99b5d8f/uploads/202 3/0 5/2023050195.pdf
- National Commission on Teachers. (1986). The Teacher and Society: Report of the National Commission on Teachers-I.
- National Council for Teacher Education. (2009). National Curriculum Framework for Teacher Education. New Delhi: NCTE.
- National Council of Educational Research and Training. (2005). National Curriculum Framework 2005. NCERT.
- National Council of Educational Research and Training. (2019). Teacher's Self Assessment. https://ncert.nic.in/pdf/announcement/TSAR.pdf
- National Qualifications Authority. (2021). Teacher Standards for the UAE. https://tls.moe.gov.ae/Downloads/SNSC%20standards%20teachers%20English.pdf
- The Right to Free and Compulsory Education Act. (2009). (Gazette Extraordinary), Ministry of Law and Justice, Government of India, New Delhi. https://righttoeducation.in/sites/default/files/Right%20of%20Children%20to%20Free %20and%20Compulsory%20Education%20Act%202009%20(English).pdf
- Verma, J.S. (2013). Report of the Committee on Amendments to Criminal Law, 2013. New Delhi. https://adrindia.org/sites/default/files/Justice_Verma_Amendmenttocriminallaw_Jan2 0 13.pd

राष्ट्रीय अध्यापक शिक्षा परिषद्
(भारत सरकार का एक सांविधिक निकाय)

गुरूर्गुरूतमो धाम
NCTE

National Council for Teacher Education
(A Statutory Body of the Government of India)

By e-mail / Hand / Speed Post / Fax

**NCTE-Acad013/2/2021-O/o US(Acad.)-HQ** 31st August 2021

**OFFICE ORDER (Revised)**

It is decided to constitute a committee of the following members on National Professional Standards for Teachers (NPST) within NCTE. The committee would examine the relevance of para 5.20 of NEP 2020 and devise an appropriate strategy for developing & designing a National document on NPST.

| Sl. No. | Name & Address | Designation |
|---|---|---|
| 1. | Prof. CK Saluja, (Rtd). CIE, DU. New Delhi, | Chair |
| 2. | Prof. Anil Kumar Shukla. VC. KMCL University. Lucknow, UP | Member |
| 3. | Dr. Shakila T Shamshu. former OSD. DONE. MoE. New Delhi | Member |
| 4. | Prof Padma Sarangpani, TISS. Maharashtra | Member |
| 5. | Prof. Ranjana Arora, NCERT, New Delhi | Member |
| 6. | Prof K Ramchandran (Rdt) NIEPA. New Delhi | Member |
| 7. | Dr. Vishwajit Saha, Director CBSE. New Delhi | Member |
| 8. | Dr. Robin Chetri, SCERT, Gangtok, Sikkim | Member |
| 9. | Ms. Ramya Vcnkatraman. CENTA, Bangalore, Karnataka | Member |
| 10. | Shri. D K Chaturvedi, Under Secretary. NCTE. New Delhi | Convener |
| 11. | Dr. Parul. Senior Academic Consultant, NCTE, New Delhi | Co-convener |

2. Terms of Reference: -

i. Formulation of pragmatic aspects of the policy of NEP on NPST and Cross linking.

ii. Evolving guideline for the establishment of National Centre for Teachers Quality (NCTQ) under NPST at NCTE lig.. New Delhi.

iii. Structured plan of Action on Implementation of NPST and State grading formula.

iv. Review of data of digital consultations institutional consultation on NPST and developing strategy for National/ State level consultation for preparing this national document.

v. There are many countries which have the mechanism of National Professional Standards for Teachers (NPST). Mapping of NPST of these and some other countries and Development& Design of a draft framework on NPST.

vi. Extensive review of the inputs collected during the consultation period across the country will be done by the expert committee.

Cont. Pg 2/-

vii. The committee will then undertake a review of the areas of the teacher activities requiring common/current competency level of teachers. The committee will finally formulate the draft going through the several revisions before the NPST Draft is released for public review. Comments by the reviewers from amongst the stakeholders will then be used to prepare a final draft for notification.

viii. Preparation of a Self-Development Guide/Assessment Tools on NPST will also be designed for successful implementation of NPST. This will also include the teacher's professional role and responsibility in terms of quality because of the teacher's growing role beyond the classroom, achievement of standards as well underlying teachers's participation in decision to the education matter at the school/district/sale/national level.


ix. Ensuing Completion of all tasks within 3 months, so as to implement NPST from Academic Session 2022-23.

x. Any other point found relevant to NPST implemention as per the directive of NEP 2020.

xi. To hold discussion/meeting with other stakeholders whenever necessary. The Committee may consult/co-opt teachers / Principals/ Experts as when required.

xii. TA/DA/Sitting fees shall be paid as per the NCTE Rules. The NCTE would provide the secretarial assistance as per requirement.

3. This has approval of the competent authority.



**(Kesang Y. Sherpa)**
**Member Secretary**

Copy to-

1) PS to CP for information please.

2) Deputy Secretary/Under Secretary, GA/Academic/Accounts/EDP, NCTE.

3) Copy to all concerned.

4) Guard file.

गुरुर्गुरुतमो धाम

NCTE

मुद्राधिकार

हो दस्तावेज आनी सविस्तर सगळयो प्रक्रिया राष्ट्रीय शिक्षक शिक्षण मंडळाचो बौध्दिक संपत्ती आसून ती मुद्राधिकार संरक्षीत आसा.

सगळे हक्क राखीव आसात.

Language consultancy and translation facilitated by
**National Translation Mission**
**Central Institute of Indian Languages, Mysore**

गुरूर्गुरूतमो धाम
NCTE

## राष्ट्रीय शिक्षक शिक्षण केंद्र
(भारत सरकाराची एक सांविधीक संस्था)
## National Council for Teacher Education
**(A Statutory Body of Government of India)**